**26 एप्रील, 2017 ह्या दिसा सकाळीं 10 वरांचेर टिळक मैदान वास्को, हांगा जाल्ले पर्यावरणी भौशीक सुनावणेचो इतिवृत्तांत.**

**ही सुनावणी मुरगांव बंदरा वयल्या 5(ए), 6(ए) बर्थांच्या टर्मिनल क्षमताय वृद्धी खातीर जाल्ली. हो प्रकल्प सावथ वॅस्ट पोर्ट लिमिटेड, मुरगांव हार्बर हांचो आसा.**

ही भौशीक सुनावणी 14 सप्टेंबर, 2006 चे सुधारीत पर्यावरणी प्रभाव तपासणी अधिसुचोवणे प्रमाण घडोवन हाडली. श्री. स्वनील नायक, जिल्ल्याधिकारी आनी दंडाधिकारी, दक्षिण-गोंय आनी हे सभेचे अध्यक्ष हांणी सभेंत जमिल्ल्या सगळ्यांचें स्वागत केलें आनी प्रकल्प प्रस्तावकान ताचें सादरीकरण केले उपरांत जांकां कोणाक तांचीं मतां, हरकती वा सुचोवण्यो मांडपाच्यो आसत जाल्यार तांणी त्यो मांडच्यो अशी विनवणी तांणी केली.

उपरांत प्रकल्प प्रस्तावकान पावर पॉयंट प्रेजेंटेशन करून ह्या प्रकल्पाची कोंकणी भाशेंतल्यान महिती लोकांक करून दिली.

ताचे उपरांत सभेचे अध्यक्ष, कलेक्टरान जे कोण हाजीर आसात, तांकां तांचीं मतां, हरकती मांडपाची विनंती कली. हीं सगळीं नोंद करून पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्याक धाडटले अशें तांणी सांगलें.

**ते प्रमाण सकयल दिल्ल्या व्यक्तिंनी आपलीं मतां दिल्यांत वा हरकती मांडल्यातः**

1. **<u>अविनाश तावारीश, फातोड्डें :</u>**
    a. प.प्र.त. अहवालांत व्हडा प्रमाणाचेर चुको आसात.
        - अहवालांत 10 कि.मी. अंतराचो अभ्यास म्हणला, पूण प्रत्यक्षांत फकत 5 कि.मी.चेरच सेन्सर बसयल्यात. देखून 4 कि.मी. परस उण्या अंतरा खातीरचीच माहिती एकठां यल्ल्यान हो प.प्र.त. पुराय रितीन दोशपूर्ण आसा.
        - पर्यावरणी तपासण्यो मार्च-मे 2016 मजगती गिमाच्या काळांत केल्यात. प्रदुशणाचे स्तर ज्या वेळार चड आसतात त्या शिंयाळ्याच्या काळांत त्यो करूंक जाय आशिल्ल्यो. शिंयाळ्यांत वास्को शारांत चडांत चड प्रदुशण आसता जाका लागून लोक दुयेंत पडटात. वाऱ्याचे दिखेचो अभ्यास जाणून बुजून करूंक ना आनी अहवालांत तो दिश्टी पडना. उण्यांत उण्यो नोंदी मेळच्यो म्हूण वॅप्कोसान मुद्दाम जावन हें अशें केलां.
        - दिशाभूल करपी भोंवतण मार्गदर्शक सुचोवण्यो वापरल्यात (प.प्र.त.चो तकटो 3.1).
        - सरासरी नोंदींची भारतीय मानकस्तरांचे दीसपट्टे मर्यादे कडेन तुळा केल्या. भारतीय मानकस्तरांचे भोंवतणेच्या हवेचे वर्सुकी सरासरी कडेन न्हय. ताका लागून वॅप्कोसान 24 ताशी मान्यताय मर्यादे कडेन तुळा करून चुकीचें विश्लेशण केलां, हें सिद्ध जाता. हें विश्लेशण जाणीवपूर्वक आसा.
        - भारतीय मानक स्तर अपर्याप्त आसात, ते सारके नात. देखीक घनकण 10 खातीर जागतीक मानकस्तर 50 जाल्यार भारतांत ते 100 आसात. हीच गजाल हेर प्रदुशक घटकांचे बाबतींत लेगीत खरी आसा. सद्याचे भारतीय स्तर गृहीत धरल्यार लेगीत भारतीयांक धोको आसा.

- घनकण 2 आनी 10 चे स्तर जा.भ.सं. न निर्धारीत केल्ल्या स्तरां परस अनुक्रमान 4 आनी 3 पटीन चड आसात. जंयच्यान कोळसो आयात करतात त्या ऑस्ट्रेलियांत लेगीत हाचे परस खर नियम आसात.
- आयात केल्ल्या कोळश्याची ओलसाण चड आशिल्ल्यान हवेंत धुल्ल हुबपाचें प्रमाण उणावता, हो वॅप्कोसाचो दावो चुकीचो आसा. हाचें कारण चड ऍश आनी उणी ओलसाण आशिल्लो कोळसो कच्चो माल म्हूण वापरतात अशें प.प्र.त. च्या पान 4.16 आनी 5.6 भितर म्हणलां.

b. प्रस्तावीत प्रकल्पाचो जल-पर्यावरणाचेर जावपी परिणामाचो अभ्यास ह्या अहवालांत करूंक ना. तशेंच पोर्टांतले लॅंडाचे (भिडाचे) स्तर दर्या-उदकांतल्या लॅंडा परस 250 पटीन चड आसा, अशें अहवालांत म्हणलां. जड धातुच्या उदकांतल्या संदुशणाचे सुरक्षीत मापदंड अहवालांत दिवंक नात.

c. मातयेचे स्तर फकत बंदर वाठारांत तपासल्यात, पुराय बाधीत वाठारांनी न्हय. आर्सेनीक मर्क्युरी सारक्या जड धातुं खातीर मातयेची तपासणी कंपनीन करूंक ना.

d. प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून हुबपी धुल्लाचें प्रमाण थरोवंक ना.

e. उदक फवारणी फावो तितली ना.

f. उदका थेंब्यांचो आकार घनकणा परस व्हड वा ताचे येदो जाय.पूण कंपनी सामान्य आकाराचे स्प्रिंकलर वापरता देखून प्रदुशण आडावंक ते अपुरे पडटात. कोळसो जायत्या प्रमाणांत जलरोधी आसता देखून ओलसाण वाडोवपी घटक वापरपाची गरज आसता. पूण कंपनी ते वापरी ना. ल्हान घनकण जायते दीस हवेंत तशेच हुबत रावतात आनी मुळावे सुवाते पसून पयस हुबत वचपाची शक्यताय आसता. देखून बंदरा वयले कोळश्याचे हाताळणेक लागून गोंय धोक्यांत आयलां. प्रस्तावीत वाडीक लागुनचे अतिरिक्त रेल्वे येरादारीक लागून 20-40 टक्क्यांनी हवेंतले घनकण संहत वाडटले (लिखीत निवेदन पळोवचें). अभ्यास वाठारांत रावपी लोकांचे मुळाधार स्थितीचो आनी 10 वर्सांच्या बंदराच्या काळांतल्या फुफ्फुसाच्या दुयेंसांनी पिडीत लोकांचो अभ्यास केल्लो ना.

g. सांठवण टांकयांतल्यान निर्माण जाल्ल्या धातूमळाक (स्लज) इंधन-मूल्य आसा आनी तो गांवांतल्या लोकांक वितरीत करतले, अशें अहवालांत म्हणलां. पूण हो स्लज आम्ल आशिल्ल्यान आनी तांतूत विखारी घटक आनी जड धातू आशिल्ल्यान तो भोवच घातक आसता. असो स्लज इंधन म्हूण लासलो जाल्यार तें लोकांच्या आनी खासा करून भुरग्यांच्या जिविताक भोवच मारक थारू येता. हाचे वेल्यान कोळसो कोयर हाताळणेंतलें कंपनीचें हलगर्जीपण दिश्टी पडटा.

h. तशेंच कोळसो सकयल बसपाचें प्रमाण लेगीत कंपनीन थरोवंक ना.

i. अदानी अबॅट पॉयन्ट कोल पोर्ट, ऑस्ट्रेलिया हांगा आडयाळ्या पावसाक लागून घडिल्ली वा जहाज बुडिल्ल्यान घडिल्ली आपत्ती (देखीक मुंबय दर्यांत बुडिल्ली अदानीची बोट) सामकारावपी आपत्ती वेवस्थापन येवजण कंपनी कडेन तयार ना.

j. बंदराचेर बलास्ट उदक (उफेवणी उदक) वेवस्थापन यंत्रणा ना. प.प्र.त. अहवालांतली सुचोवणी (बलास्ट उदक दर्यांत सोडूंक मेळचें ना) फकत निर्धारीत बर्थाचेरच बलास्ट उदक सोडूंक मेळटलें - ह्या मुरगांव बंदर नियम, 1966 च्या विरोधांतली आसा. प्र.प्र. न स्राव नियंत्रण स्तरां विशीं कांयच उल्लेख केल्लो ना.

k. हो वाठार संवेदनशील आशिल्ल्यान स.डा., ना.ऑ. नियंत्रीत जावन जो मेरेन हो वाठार स्राव नियंत्रीत वाठार म्हूण घोशीत जायना तो मेरेन एम.पी.टी.न विस्तार करूंक जायना.

l. ट्रक आनी ट्रेनींक लागून जावपी स्रावांचे वाडीचो विचार कंपनीन करूंक ना.

m. नुस्तेमारीचेर जावपी प्रभावाचो विचार करूंक ना. एम.पी.टी.चे 08-09-2010 तारखेक जाल्ले 24 वे ट्रस्टी मंडळाचे चवथे बसकेंतल्या कार्यवृत्तांतांत एम.पी.टी.च्या अध्यक्षांनी फुडल्या देड वर्सात खारीवाडो जेटी हालयतले अशें म्हणलां. झुवारी न्हंयेंत चडकरून नुस्तेमारी उरची ना अशेंय तांणी म्हणलां.

n. अमोनिया/नाफ्था लागी आशिल्ल्यान जो धोको निर्माण जाला तो आपत्ती वेवस्थापन येवजणेन नियंत्रणांत येवचो ना.

o. देखून, हो प्रकल्प वर्सूयभर चलपाचो आशिल्ल्यान, वॅप्कोसान तयार केल्लो तात्काळ प.प्र.त. अहवाल अपर्याप्त आसा. हो प्रकल्प भोवच घातक आनी पर्यावरणी नदरेन अशक्य आसा हें दिश्टी पडटा आनी देखून तो रद्द करूंक जाय.

p. वॅप्कोसाच्या प.प्र.त. अहवालांत साबार दोश आसात ते दाखोवन दिले (लिखीत सादरीकरण पळोवचें). हो अहवाल प्र.प्र.कडेन झुकिल्लो आनी साबार तथ्यां शेणयल्लो आनी असत्य आसा अशें म्हणप चुकीचें थारचेंना, जाचे खातीर वॅप्कोसाचेर दक्षताय कारवाय करप गरजेचें आसा.

2. **<u>श्रीमती जुडीथ आल्मेदा</u>**

a. हे भौशीक सुनावणेक सरकारान पिवपाचें उदक दिवंक ना म्हूण निशेध व्यक्त केलो. लोकांक प्र.प्र.कान दिल्लें उदक नाका. लोकांचो स्वाभिमान काडून घेवचो न्हय.

b. प्रदुशण मंडळाक हाचे आदीं इतलीं वर्सां मायनिंगाक लागून जाल्लें धुल्ल प्रदुशण नियंत्रीत करपाक अपेस आयलां. आनी देखून कोळसो हाताळणी प्रकल्प विस्तारा उपरांत जाल्लें प्रदुशण लेगीत आडावपाक जावचेंना.

c. गोंयच्या झाडांचेर कोळश्याचो थर बसतलो आनी तांचें पांचवेचारपण नश्ट जातलें.

d. चड कोळसो हाताळणेक परवानगी दिवचे पयलीं, मायनिंगाचें आनी उद्देगांक लागून जाल्लें प्रदुशण गों.रा.प्र.नि.मं.न पयलीं आडावचें. जोमेरेन जाल्लें नुकसान भरून येना, तो मेरेन प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाचो प.रा.ह.ब. मंत्रालयान विचार करचो न्हय. तो मेरेन आपूण विस्ताराचो निशेध आनी विरोध करतां.

3. **<u>श्री. सिद्धार्थ कारापुरकार</u>**

a. रेल्वेच्या रुळांचें दुपेटीकरण करूंक कंपनीन रान खात्याक अर्ज केला, ताचो प.प्र.त. अहवालांत कांयच उल्लेख ना.

b. रेल्वेचें डबल ट्रॅकिंग जातलें तेन्ना 100 वयर घरां ताका लागून वतलीं.

c. खनिजाची वाहतूक करपा खातीर जी ताडपत्री वापरतात ती फावो तितली ना.
d. ह्या अहवालांत कोळसो हाताळणेक लागून जाचेर परिणाम जातलो त्या दाबोळी विमानतळाचो अजिबात उल्लेख करूंक ना.
e. रेल्वे दुपेटीकरणाक लागून गोंयांतली गांवां विभागून वतलीं.
f. थर्मल एनर्जी सौर उर्जे परस जायती म्हारक आसता. हरीत उर्जेक पोसवण दिवपा वांट्याक आमी प्रदुशणकारी उद्देगांक प्रोत्साहन दितात.
g. कंपनीच्या प्रस्तावाक लागून कोळसो प्रदुशण जातलें, जें प्रधानमंत्र्यांचे स्वच्छ भारत घोशणेच्या विरोधांत आसा.
h. कोळसो येरादारींत वाड जाल्ल्या कारणान डिजेलाचो चड वापर जावन ध्वनी आनी हवा प्रदुशणांत वाड जातली.
i. प्रधानमंत्र्यांनी आंतरराष्ट्रीय संमेलनांत 40 टक्के जिवाश्म इंधन उणें करपाचे समजिकायेचेर निशाणी केल्या, जाल्यार आमी गोंयांत कोळसो कित्याक हाडटात?

4. <u>फियोला रिगो, आदल्यो नगर सेवक, खारीवाडा, वास्को</u>
a. गोंयांत येता तो कोळसो गोंयांत वापरनात, जाल्यार तो कर्नाटकांत वता. हो कोळसो कर्नाटक राज्यांतल्या बंदरांतल्यानच थंय व्हरचो.
b. ड्रॅजींग उपक्रमाक लागून खारीवाड्या वयलीं घरां कोसळटलीं.
c. शिंयाळ्यांत चड वारें आशिल्ल्यान, खारीवाड्याचेर लोकांक जनेलां बंद दवरचीं पडटात.
d. एम.पी.टी.च्या बंदरा विशींच्या अभ्यासांत उदक प्रदुशण जाल्ल्याचें दिश्टी पडलां.
e. ट्रकांतल्यान कोळश्याची रातची येरादारी करपाचो एम.पी.टी.चो प्रस्ताव सारको ना. रातचें लेगीत प्रदुशण जातलें आनी तें नागरिकांचेर आनी तांचे भलायकीचेर परिणाम करतलें.
f. एम.पी.टी.न धांपिल्ल्या कंटेनरांनी कोळश्याची हाडव्हर करूंक जाय.
g. धुल्ल आडावपा खातीर केल्ली उदक फवारणी वेवस्था फावो तितली ना. उदकांत धुल्ल सकयल बसता आनी सुकतकीच परत वयर हुबता.
h. एम.पी.टी.च्या क्वार्टर्सांतलें सांडपाणी उक्ताडार व्हांवता. कंपनी आपल्या क्वार्टर्सांतलें उदक नियंत्रीत करूंक शकना जाल्यार कोळश्या हाताळणेंतलें सांडपाणी कशें आडायतली?
i. तशेंच वास्कोकारांचेर ह्या प्रकल्पाच्या जावपी परिणामांचो कसलोच अभ्यास कंपनीच्या सादरीकरणांत ना.

5. <u>श्री. सावियो कुरैय, मांगोर हिल, वास्को</u>
a. प्रकल्प प्रस्तावकान फकत प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून जावपी पर्यावरणी परिणाम सांगल्यात. शेजारच्या बर्थांतल्या आनी भुगोलीक वाठारांतल्या हेर सगळ्या प्रकल्पांक लागून जावपी एकवटीत परिणाम दाखोवंक नात.
b. प्र.प्र.न प.प्र.त. अहवालांत पर्यावरणी सत्य घडणुकांचें चुकीचें विश्लेशण केलां आनी माहिती लिपोवन फटींगपणां केल्यांत.

c. फॉर्म I च्या, परिशिश्ट-IX भितर पर्यावरणाचेर प्रकल्प वावराक लागून कांयच प्रभाव जावचे नात अशें विधान प्र.प्र.न केलां आनी देखून हो अहवाल लोकांची दिशाभूल करपी आसा, देखून ही भौशीक सुनावणी रद्द करची.

d. तांणी सैमीक संसाधनांच्या वापरा संबंदान अनुसुची I, परि. 2 चो संदर्भ दिलो.

e. कंपनीक फकत कोळश्यांचेर मारपा खातीर दिसाक सात लाख लिटर उदक लागतलें, पूण गोंय राज्यांत आनी खासा करून वास्को शारांत उदकाची कमतरताय आसा.

f. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान 19.06.2015 च्या परि. 3 वरवी दिल्ल्या संदर्भ संहिता प्रमाण कंपनीन जियोडिसीट पॅराबोलीक डोम वापरपाक जाय आशिल्ले. पूण कंपनी फकत ताडपत्री वापरतात. कंपनीन प.रा.ह.ब.मंत्रालयाचे सुचोवणे प्रमाण कोळश्याचे शेडीचो लेगीत विचार करुंक ना.

g. जयगड हांगा कंपनीन शेड बांदल्या ती तांचे कम्प्यूटर खराब जातात म्हणून. तशे तरेचे यत्न वास्कोंत कित्याक करूंक नात?

h. कंपनीचें रेल्वे रॅक सुमार 415 कि.मी.चेर कोळश्याची येरादारी करतले. कंपनीन हे येरादारीचो पर्यावरणाचेर जावपी प्रभाव विचारांत घेवंक ना. खासा करून हो मार्ग संवेदनशील पश्चीम घाटांतल्यान वता. येरादारी संबंदान तांणी सकयल्यो सुचोवण्यो कल्योः

- रेल रॅकाचेर संवसारीक पांवड्या वयल्या पद्दती प्रमाण फायबराचे लीडस धांपपाक जाय.
- ताडपत्रेन वॅगन धांपप मान्य ना.
- वॅगना वयलो पॅरासिटीक लोड हवेंत हुबता तशेंच परततना ताचेर उरिल्लो कोयरूय हवेंत हुबता. तो उणो करपाची यंत्रणा उपलब्ध ना.
- रॅक वतले येतले लायनीचेर तपासणी केंद्र बसोवपाक जाय आनी ताचो खर्च कंपनीन करपाक जाय आनी ताची देखरेख गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान करपाक जाय.

i. कोळसो हाताळणी वाडटकीच रॅकांची संख्या वाडटली आनी ताका लागून रेल्वे क्रॉसिंगाचेर गर्दी जातली. सगळ्या मुखेल क्रॉसिंगांचेर ओवर ब्रीज बांदचे.

j. कंपनीन आतां मेरेन पर्यावरण नेमांची मात लेगीत पुर्तताय करूंक ना. राज्य सरकारान विधान सभेंत कंपनीच्या पर्यावरणी पुर्तताये विशीं आपूण समाधानी ना अशें सांगला. देखून प्रदुशण नियंत्रण मंडळान तांकां कोळसो हाताळणी कमी करपाक सांगल्या. अशे स्थितींत प्रकल्प प्रस्तावकाक विस्तार करपाक कसो दिवं येता? जो मेरेन गों.रा.प्र.नि. मंडळान स्रोत अभ्यास करूंक ना, तो मेरेन कंपनीक विस्ताराक मान्यताय दिवपाक जायना. तांणी सकयल्ले मुद्दे मांडलेः

- ही प्रकल्प सुवात सी.आर.झेड. वाठारांत पडटा. तांची परवानगी घेवंक ना.
- चिखली सांकवाळ खाडीच्या जैव-विविधतायेचेर जावपी पर्यावरणी प्रभावाचो अभ्यास करूंक ना.
- प.रा.ह.ब. मंत्रालयाच्या 30.05.2012 च्या पत्रा प्रमाण पुर्तताय अहवाल प्रकल्प प्रस्तावकान भेटोवंक ना.

k. 2001 वर्सा पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान राज्य सरकारा कडल्यान बांदकामा खातीर लायसन्स घेवपाक सांगिल्ले. ह्यो खंयच्योच गजाली तांणी पुराय करूंक ना.तांणी पयल्या इ.सी.चे उल्लंघन केलां आनी हाचे फुडें लेगीत ते करीत रावतले.

6. **<u>ॲड. श्रीधरन</u>**

a. वास्कोच्या नागरिकांनी दोन वर्सा पयलीं हायकोर्टांत दाखल केल्ले केसीक लागून कंपनीच्या प्रदुशणाचे स्तर वाडिल्ल्याचें कोर्टाचे नदरेक आयलें. फायर स्टेशन, वीज खातें आनी एम.पी.टी. केंद्रांचेर झाडां आनी बिल्डिंगांक लागून सांवट येता. ताका लागून स्तर मेजणी चुकता. देखून थंयचीं केंद्रां हालोवचीं.

b. प्रदुशण नियंत्रण मंडळ ही तपासणी कित्याक करीना? नेरीच्या आदेशा प्रमाण आशिल्लें केंद्र बंद कित्याक केलें?

c. हायकोर्टाचो आदेश गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान, कोळसो हाताळप्यांनी आनी सगळ्या खात्यांनी पाळूंक जाय.

7. **<u>श्री. तेर्रान्स जॉर्ज, बांबोळी</u>**

a. 10 कि.मी. भोवतणीच्या वाठारांतल्या सगळ्या गांवांक हो अहवाल पावला काय ना? आपले माहिती प्रमाण हो अहवाल पावूंक ना. देखून ही एक पूर्व-अट आशिल्ल्यान हो अहवाल दिवंक ना म्हणून आयची सुनावणी रद्द करची अशी तांणी मागणी केली.

b. तुमी मांडिल्ली हरकत नोंद करून ई.ए.सी.क आनी पर्यावरण खात्याक कळयतले अशें सभेच्या अध्यक्षांनी सांगलें.

c. बाधीत गांवांक हो अहवाल आनी कार्यकारी सारांश मेळूंक नाशिल्ल्यान ते हांगां येवंक पावले ना. देखून ही आयची सुनावणी रद्द करची.

d. ताजेर अध्यक्षांनी आयचे भौशीक सुनावणे विशीं इलॅक्ट्रोनीक माध्यमां, स्थानीक चॅनलांचेर लेगीत खूब प्रसिद्धी केल्ली. म्हणून तेर्रान्स हांची सुनावणी रद्द करपाची मागणी तांणी कुशीक दवरली.

e. श्री. जॉर्ज हांणी आयची भौशीक सुनावणी मंडळाचे वेबसायटीचेर प्रसिद्ध करूंक नाशिल्ल्यान रद्द करची अशी परतून मागणी केली.

f. सं.सं.चो परिच्छेद 2.2 चें उल्लंघन कंपनीन केल्लें आसा.

g. अध्यक्षांनी पर्यावरणी प्रभाव तपासणीचे अनुसूची 2.4 चेर भर दिवन सांगलें, कार्यकारी सारांश सगळ्यांक दिल्लो आसा आनी ही सुनावणी हाचे पयलीं दोन फावटी फुडें धुकल्ल्या आनी आजून मेरेन अहवाल पावूंक ना म्हूण कागाळ करपी एकूय अर्ज येवंक ना, देखून ही सुनावणी रद्द करप शक्य ना अशें तांणी सांगलें.

8. **<u>फादर एरिमीतो.</u>**

a. तेर्रान्स जॉर्जाच्या मता कडेन आपूण सहमत आसा. देखून ह्या प्रकल्पाचो निशेध करतां.

b. वास्कोंतलें आनी भोवतणीचें लोक प्रस्तावीत कोल हबाक विरोध करतात.

c. वास्कोंतले कोळसो प्रदुशण गंभीर आसा. कांय व्यक्तींच्या स्वार्था खातीर सरकार अश्या प्रकल्पांक तेंको दिता.

d. पर्यटन गोंयचें महसुलाचें मुखेल साधन. कोळसो उत्पादन वाडलें जाल्यार पर्यटन काबार जातलें हाचो अभ्यास कंपनीन करूंक ना. दाबोळी विमानतळाचेर आनी पर्यटन आनी भोंवडी वेवसायांतल्या लोकांचेर हाचो विपरीत परिणाम जातलो.

9. **श्री. विक्रम, बायणा.**

a. आयज कामांक सुटी आशिल्ल्यान एम.पी.टीं.त कोल राशींचेर ताडपत्री धांपिल्ली ना. पॅनल मेंबरांक हें पळोवपाक तांणी ह्या वेळार आपयले. एम.पी.टी. कायद्याचें उल्लंघन करता तें स्पश्टपणान पळोवंक मेळटले.

b. वास्कोकारांक दुयेंसां जाल्यांत आनी सरकारी खातीं मात तांकां सहकार्य करिनात.

10. **ॲड. ग्लेर्क डिसोझा, अध्यक्ष, सेव्ह वास्को सिटिजन कमिटी.**

a. खूब वर्सां सावन कोल हाताळणी वेवसायांतलें प्रदुशण उणें करपाक ह्यो कंपनी उण्यो पडल्यात. तांकां ते बाबतींत अपेस आयलां.

b. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आपणाक जुलाय, 2005 त गोंयांत हाडिल्लो कोळसो कर्नाटकांत धाडटात अशें बरयलां.

c. वास्को शारांत मुखावयली कोळसो हाताळणी/विस्ताराक तांणी विरोध केलो.

11. **आमदार श्री. आलॅक्स रेजिनाल्ड.**

a. 10 आनी 11 हे बर्थ आजुनूय चलतात.

b. कंपनीन केल्लें सादरीकरण अत्यंत बालीश आसा. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान खंयच्याच भंयाक बळी पडनासतना निडर आनी निशपक्षपणान वास्कोंतल्या प्रदुशणा विशीं अहवाल दिवपाक जाय.

c. गोंयकार अधिकाऱ्यांनी आनी मंडळान आपल्या कुसेंसाक धरून काम करपाक जाय.

d. वास्को शाराक कोल हब करपाच्या प्रस्तावाक तांणी पुराय रितीन विरोध उक्तायलो.

12. **रॉनी डिसोझा, नुस्तेंकार.**

a. नुस्तेंकार समाजान ह्या वेवसाया विशीं आनी तांच्या धंद्याचेर जावपी परिणामा विशीं साबार हरकती घेतल्यात. तांच्या वेवासायाचेर ह्या प्रकल्पाचो खूब परिणाम जाता. वूडचिप्स आनी जिप्सम हांकां लागून प्रदुशणांत खुबूच भर पडल्या.

b. हो हाताळणी प्रकल्प चालू उरतलो काय बंद पडटलो असो प्रस्न तांणी गोंय राज्य प्रदुशण मंडळाक विचारलो.

c. ताचेर सगळ्यो हरकती नोंद करतले आनी त्यो पर्यावरण आनी रान मंत्रालयाक धाडटले आनी ते ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवची वा ना तें थारायतले, अशें अध्यक्षांनी जाप म्हूण सांगलें.

13. **श्री. चंद्रशेखर वस्त, वास्को.**

a. प्रकल्प प्रस्तावक आनी हेर कोळसो हाताळपी कंपन्यो प्रदुशण नियंत्रणाचे कसलेच उपाय राबयनात. कांय उद्देजकांचेर फावोर करपा खातीर खातीर गोंय सरकार वास्कोक कोल हब करूंक भायर सरलां.

b. जर एखादऱ्या दुचाकी वाहना कडेन प्रदुशणाचो दाखलो नासत जाल्यार ताका सरकार तालांव दिता. पूण प्रदुशण करपी कंपनीचेर मात सरकार कसलीच कारवाय करीना.

c. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाक विरोध केलो.

**14. <u>श्री. फ्लोरयानो लोबो, अध्यक्ष, गोवा एनवायरोमेंट प्रॉटेक्शन.</u>**

a. प्रकल्प प्रस्तावकाक कोळसो हाताळणेचें प्रदुशण नियंत्रीत करपाक अपेस आयला. तांकां उत्पादनाक वाड जाली जातकीच जाल्लें प्रदुशण नियंत्रीत करपाक शक्य जावचेंना.

b. कोंकणी भाशेंतल्यान ह्या अहवालाची प्रत संबंदीत गांवांक पावूंक नाशिल्ल्या बद्दल तांणी विरोध व्यक्त केलो.

c. गोंयांत 1961 सावन कोळसो उद्देग चलता आनी सेगीत प्रदुशण करता. जर कोळसो हाताळणी थारूंक ना जाल्यार वास्कोकार रस्त्यार येतले.

d. केंद्र सरकारान वास्कोंतल्या लोकांचेर कोळसो उद्देग थापून तांकां धमकावपाक जायना.

e. केंद्र सरकाराच्या ह्या आडमुठ्या धोरणाक लागून गोंयाक भारता पासून मुक्त करपाक जाय.

**15. <u>ऑलेन्सियो सिमोयश, जनरल सेक्रेटरी, गोंयच्या रांपणकारांचो एकवट.</u>**

a. पर्यावरणी प्रभाव तपासणी अहवाल प.प्र.त.च्या 2.2 खालाच्या तरतुदी प्रमाण लोकांक उपलब्ध करूंक ना.

b. बाधीत गांवांतल्या लोकांक थळावे भाशेंत अहवाल दिवपाक जाय आशिल्लो, तो कंपनीन दिल्लो ना.

c. 10 कि.मी. अंतराच्या गांवांचेर प्रकल्पाच्या जावपी परिणामांचो अभ्यास करूंक ना. बाधीत गांवांक अधिसुचीत करी मेरेन आनी थळावे भाशेंत लोकांक प.प्र.त. अहवाल उपलब्ध करी मेरेन ही सुनावणी स्थगीत करची.

d. हाचे विशीं हे आदींच निर्णय घेतला, ही भौशीक सुनावणी चालू उरतली, लोकांच्यो सुचोवण्यो नोंद करून घेतले आनी पर्यावरण मंत्रालयाक धाडटले, अशें ताचेर जाप दितना अध्यक्षांनी सांगलें.

e. हे सभेंतल्यान भायर सरून जिल्ल्याधिकाऱ्यान अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्याक फुडले सुनावणेचो अधिभार दिल्ले खातीर हरकत घेतली.

f. कोंकणींतल्यान प.प्र.त. अहवाल नासतना लेगीत सुनावणी फुडें चालू दवरपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाक विरोध केलो.

g. वॅपकोसान तयार केल्ल्या अहवालांत जायते संबद्ध विशय घेवंक ना देखून तांणी प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो.

h. आपली हरकत मानून ना घेवपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाची नोंद जावची आनी ती प.रा. मंत्रालयाक निर्णया खातीर धाडची.

i. 5(ए) आनी 6(ए) बर्था वयलें धुल्ल प्रदुशण उणें करपा खातीर कंपनीन कसलेच उपाय करूंक नात.

j. हें कोळसो प्रदुशण इतलें गंभीर आसा, ताका लागून नुस्तेंकारांच्या फुडाराचेर परिणाम जाला. माध्यमांनी आतां मेरेन ते विशीं जायतें छापून आयिल्लें आसा. तरी लेगीत कंपनीन कसलेच तरेचे आदेश दिवंक नात.

k. व्हडा प्रमाणाचेर कोळसो-मिश्रीत पाणी कंपनी दर्यांत सोडटा. ताका लागून दर्यांत ब्लॅक पॅचीस निर्माण जाल्यात जाका लागून वनस्पती आनी प्राणी जिवन नश्ट जायत आसा.

l. कंपनी दिसाक जें 7 लाख लिटर उदक वापरतली ताजे विशीं कसलोच प्रस्ताव ना.

m. इतलें व्हड प्रमाणांत उदक वापरिल्ल्यान सामान्य मनशांक उदकाचो तुटवडो निर्माण जातलो.

n. 5(ए) आनी 6(ए) बर्थांचेर कोळसो हाताळणेक लागून कोळसो मिश्रीत उदक दर्यांत गेल्ल्या कारणान नुस्तेंकारांचेर परिणाम जाता. कोळश्याची दर्यांतली गळटी आडावपाक कसलेच उपाय कल्ले नात.

o. ट्रकांतल्यान कोळसो हाडिल्ल्यान धुल्ल प्रदुशण जाता तशेंच गांवांतल्या रस्त्यांची दुर्दशा जाता. प्रस्तावीत प्रकल्पांतल्यान जावपी अतिरिक्त कोळश्याची हाताळणी करूंक फावो तितली साधन सुविधा आसा?

p. वाडीव कोळसो हाताळणेक लागून थळावे जल जिणेक आनी लोकांच्या/नुस्तेंकारांच्या पोट भरपाच्या साधनाक जावपी हानी भरून काडपाक कसलोच प्रस्ताव ना.

q. उजो लागप वा वादळ येवप ह्या कारणांक लागून जावपी आपत्ती सामकारावपाक आपत्ती वेवस्थापनाची कसलीच तरतूद ना.

r. प.प्र.त. अहवालांत सुरवेक कॅपिटल ड्रेजिंग अशें म्हणिल्लें तें उपरांत मेंटेनन्स ड्रेजिंग जालें. वॅपकोसाच्या ह्या चुकीच्या अहवालाक लागून एम.पी.टी.क 50 कोटी रुपयांचो दंड भरचो पडलो. वॅपकोसाच्या सद्याच्या प्रकल्प प्रस्तावकाच्या ह्या प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो.

**16. <u>श्री. सिद्धेश भगत, नावेलीं.</u>**

a. सुनावणेच्या लोकांक उदक दिवपाक प्र.प्र.काक जमले ना. पूण कंपनी मात दिसाक 7 लाख लिटर उदक वापरूंक सोदता.

b. वास्कोकारांचे भलायकेचेर जावपी विपरीत परिणाम पयसावपाक घेवपाचे उपाय प.प्र.त. अहवाल आनी प्र.प्र.चें सादरीकरण हांतूत सांगिल्ले नात. ह्या प्रकल्पाक जर परवानगी दिली जाल्यार वास्कोचें कोळश्याच्या केंद्रांत रुपांतर जातले.

c. सगळ्या लोकांच्यो भावना पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्या कडेन सरकारान सारक्यो पावोवच्यो.

**17. <u>श्री. सिडनी फुर्तादो.</u>**

a. फिशींग ट्रॉलर बर्थ 11 चेर ट्रॉलर लायता. बर्थ 10 आनी 11 चेर कोळसो हाताळणी बंद केल्ले खातीर मंडळाची तुस्त केली. प्रदुशण नियंत्रणाचे कसलेच उपाय करीनासतना अदानी आनी जिंदाल कोळसो हाताळणी प्रकल्प चलयतात.

b. कोळसो हाताळणी प्रकल्प आनी ताचो विस्तार हांकां तांणी विरोध केलो आनी बेगिनांत बेगीन टप्प्याटप्प्यान कोळसो हाताळणी पुराय रितीन बंद करची.
c. जे यंत्रणेन प.प्र.त. अहवाल तयार केला तो अर्दकुटो आनी चुकीचो आसा.
d. वास्कोंतले प्रदुशणाचें स्तर भोवच उंच आसात आनी ही गजाल फाटलीं कांय वर्सां चलता. कंपन्यांनी हरीतपट्टो निर्माण करूंक जाय त्या उपायांची अमलबजावणी कंपनी करीना.
e. जे.एस.डब्ल्यू. आनी अदानी बंद कंटेनरांतल्यान कोळसो व्हरूंक न्हयकार दितात.
f. पावसांत कोळश्याक लागून पुराय उदक काळें जाता अशें नुस्तेंकारांक दिश्टी पडलां. ताचेर मंडळान कारवाय करची आनी ल्हवू ल्हवू कोळसो हाताळणी बंद करची.

**18. <u>श्री. गांधी हॅनरीक्स, वास्को.</u>**

a. आयची सुनावणी एन.जी.टी.च्या 2/9/2016 तारखेच्या निकालाक लागून घडटा.
b. एन.जी.टी.न प.रा. मंत्रालया कडल्यान ड्रेजिंगा खातीर इ.सी. मागून घेतिल्ली. पूण एन.जी.टी.न ती दिवंक ना.
c. तीन दीस चलिल्ले भौशीक सुनावणेक विरोध केलो.
d. हाचे पयलींत 60% ड्रेजिंगाचें काम जर जाल्लें आसा जाल्यार ही सुनावणी जायच तरी कित्याक?
e. लोकांच्यो हरकती मानून घेतल्यो जाल्यार एम.पी.टी. हे सुवातेक मुळावे स्थितींत हाडटली व्हय?
f. ह्या प्रकल्पाच्या विस्ताराक आपलो खर विरोध आसा.

**19. <u>श्रीमती स्वाती केरकार, केरी, फोंडें.</u>**

a. वास्को एक कोळश्याचे केंद्र जातलें म्हणून आपूण ह्या प्रकल्पाक विरोध करतां.
b. आयज सोनशी गांवांत जें प्रदुशण जालां तें बंद करपाक लेगीत प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक अपेस आयिल्लें आसा. जाल्यार कोळसो हाताळणेचें प्रदुशण कशें कितें बंद करतलें?
c. सरकारी खातीं काम करीनात जाल्यार वास्कोचें लोक रस्त्यार येतले आनी आंदोलन करतले.
d. मंडळाक राज्यांतलें आनी कोळसो प्रदुशण नियंत्रण करपाक अपेस आयलां.
e. राज्य आनी केंद्र सरकार लोकांचेर जे.एस.डब्ल्यू. सारके प्रकल्प थापतात.
f. सरकारी अधिकाऱ्यांनी लोकांचे वटेन काम करचें, लोकांच्या विरोधांत न्हय.
g. प्रस्तावीत प्रकल्पाक आपलो खर विरोध तांणी उक्तायला.

**20. <u>श्री. डॉम्नीक नोरोन्हा.</u>**

a. तांणी ह्या प्रकल्पाक विरोध उक्तायलां.
b. अहवालांत घेतिल्ली म्हायती 2011 च्या जनगणने प्रमाण घेतल्या देखून ती पोन्नी आसा. देखून तिचेर विस्वास दवरपाक जायना कारण आयज आमी 2017त आसात. देखून नवी माहिती घेवन प.प्र.त. अहवाल परतून बरोवचो.
c. कंपनीन ज्या 19 गांवां विशीं अभ्यास केला तांची नांवां विचारलीं.
d. कंपनीच्या प्रस्तावकान तांकां तीं नांवां वाचून दाखयलीं.

e. प.प्र.त. अहवालांत अभ्यास केल्ल्या गांवांचीं नांवां येवंक नात. ताका लागून हो अहवाल चुकीचो थारता.

f. थळाव्या लोकांचेर जावापी समाजीक-अर्थीक परिणामां विशीं अहवालांत उल्लेख ना.

g. संबंदीत थळाव्या पंचायतिंनी ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली ना.

h. थळाव्या खात्यांनी लेगीत ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली ना.

i. आतां मेरेन गोंयची धारण-क्षमताय (कॅरियींग कॅपॅसिटी) थारावंक ना. ती बेगिनांत बेगीन थळाव्या सरकारी अधिकाऱ्यांनी थारावची.

**21. <u>श्री. सायमन परेरा, वास्को.</u>**

a. अदानी कंपनीन ऑस्ट्रेलियांत केल्ल्या जायत्या बेकायदेशीर वावराक लागून तांकां भोवच दंड घातला.

b. ते तुळेन भारतांत मात तांचेर प्रदुशण केल्ले खातीर कांयच कारवाय जायना.

c. राज्य सरकारान ऑस्ट्रेलिया सरकारा भशेनूच कारवाय करची. तशेंच ह्या प्रकल्पा संबंदान 10 कि.मी. वाठारांतल्या लोकांचो ओपिनियन पोल घेवचो.

d. भौशीक सुनावणी घेवप म्हळ्यार वेळ, पयसो आनी शक्त फुकट घालोवप

e. कोळसो हाताळणेक वास्कोच्या इतल्या लोकांचो विरोध कित्याक आसा? हाचो अध्यक्षांनी विचार करचो.

f. कंपनी करता ती उदक फवारणी धुल्ल प्रदुशण उणें करपा खातीर न्हय, तर कोळश्याक लागून लागपी उजो पालोवपा खातीर आनी कोळश्याची ओलसाण राखपा खातीर.

g. वास्को टायम बॉम्बाचेर बसलां आनी तें नाफ्था टांकयो आनी अमोनिया टांकयो तशेंच कोळश्याच्यो राशी हांणी घेरलां. जर खात्यांनी हे गजालीचेर कारवाय करूंक ना जाल्यार वास्कोचे लोक कोर्टांत वतले.

h. प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.

**22. <u>श्री. रुपेश शिंक्रे.</u>**

a. भारताच्या प्रधाण मंत्र्यांनी पॅरिस परिशदेंत 2015 वर्सा फुडाराच्या पिळग्यां खातीर जिवाश्म इंधन राखून दवरपा खातीर ताचो मर्यादीत वापर करतले अशी घोशणा केल्या.

b. प्रकल्प प्रस्तावकान जिवाश्म इंधनांचो वापर केल्ल्यान हवामानाचेर विपरीत परिणाम जातलो आनी ग्लोबल वॉर्मींग जातलें.

c. एके वटेन प्रधानमंत्री हो विचार करता जाल्यार दुसरे वटेन कंपनी मात कोळश्याची हाताळणी 400%नी वाडयता. हें प्रधानमंत्र्यांच्या धोरणा कडेन पुराय रितीन विपरीत आसा.

d. पॅरीस हांगा जाल्लें प्रधानमंत्र्यांचें उलोवप पळयलें जाल्यार गोंयांतलीं कोळसो हाताळणी फेडआवट करची पडटली.

e. हवामान अभ्यास आनी ग्लोबल वॉर्मींग हांचेर प.प्र.त. अहवालांत पुराय रितीन दुर्लक्ष केलां.

f. हे तिनूय प्रकल्प एकूच प्रकल्प आसात. देखून तीन वेगळ्यो सुनावण्यो घेवपाची गरज नाशिल्ली. हें तांणी वॅपकोसाच्या अहवालाच्या परिच्छेद 2.2 चो संदर्भ दिवन सांगलें.

g. तीन सुनावण्यो घेवन राज्य सरकारान गोंयच्या लोकांची फटवण केल्या.
h. प्रस्तावीत प्रकल्प गोंयच्या भल्या खातीर न्हय तर कांय उद्देगांच्या फायद्या खातीर आसा.
i. प्रस्तावीत प्रकल्प मान्य करचे पयलीं प्रतिबंधात्मक उपाय घेवपाक जाय.
j. प्रस्तावीत प्रकल्पाची गरज तपासपाचे नदरेन, गोंयच्या धारण क्षमतायेचो अभ्यास तशेतरेच्या उद्देगां खातीर सरकारान आतां मेरेन करूंक ना.
k. सर्वोच्च न्यायालयान 2000 सीसीच्या डिजेल इंजिनांचेर बंदी घातल्या. राष्ट्रीय राजधान्यांनी ट्रकांच्या प्रवेशांचेर बंदी घातल्या. तशेंच बी.एस.3 इंजिनां बी.एस.4 इंजिनांनी परिवर्तीत करपाचो निर्णय घेतला. हे निर्णय म्हणल्यार जिणेचो हक्क आनी पर्यावरण राखण हांचे खातीरचे आदर्श आसात. तांकां लागून कंपन्यांच्या फायद्या परस भौशीक भलायकी चड म्हत्वाची हाचेर भर दिला.
l. पर्यावरणाची राखण आनी जिणेचो हक्क हांचे खातीर प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक तांणी विरोध केलो.

**23. <u>श्री. सेबेस्तियांव रोड्रिगीश, बिट्स पिलानी.</u>**

a. फाटलीं 125 वर्सां एम.पी.टी. गोंयची सेवा करता- ह्या विधानाक तांणी विरोध केलो. पुर्तुगेज तेंपार केल्ली सेवा गोंय राज्याची सेवा कशी जाता ?
b. जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पांत गोंयच्या पर्यावरणाच्या कुस्ताचेर कर्नाटकाक कोळश्याची पुरवण जाता.
c. गोंयच्या लोकांक ह्या प्रकल्पाचो कितें लाब आसा तें प.प्र.त. भितर कायच सांगूंक ना.
d. तिनूय प्रकल्पां खातीर एकवटीत प.प्र.त. तयार करपाची गरज आसा. हाचें कारण पयलो प्रकल्प हेर दोन प्रकल्पां परस वेगळो ना.
e. ई.सी. नासतना वा संबंदीत खात्यांची परवानगी नासतना एम.पी.टी.न ड्रेजिंग केलां.
f. सद्याच्या कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशण आळाबंदाक हाडूंक जे.एस.ड्ब्ल्यू.क अपेस आयला. देखून विस्ताराक मान्यताय दिवपाक जायना.
g. कांय उद्देजकांच्या फायद्या खातीर वास्कोच्या लोकांचें जिवीत धोक्यांत घालपाक जायना.
h. प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिली जाल्यार गोंय कोळसो येरादारीचें कोरिडोर जातलें.
i. प.प्र.त. अहवालांत भूगर्भी उदक विश्लेशणा विशीं कांयच सांगिल्ले ना.
j. 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतल्या कितल्याश्यांच बाधीत गांवांक प.प्र.त. अहवाला भितर कांयच सुवात दिल्ली ना.
k. मांडवी आनी झुवारी न्हंयानीं मिनाची येरादारी करपी बार्जी दर्यांत मदींच धुतात, ताका लागून उदकाचें प्रदुशण जाता.
l. कोळसो आनी मीन हांची येरादारी करतना दर्यांत सांडपाणी सोडपाचेर प्रदुशण नियंत्रण मंडळान कारवाय करपाची मागणीं केली.
m. कोळश्यांच्या राशींचेर फवारणी करपाक जें उदक वापरतले ताचो स्रोत निश्चीत करपाक जाय.

n. चीन देशांत जशें कांय वाठारांनी फाटलीं कितलिशींच वर्सां सुर्या दिश्टी पडना तशीं गोंयचीं पर्यावरणी स्थिती जावपाक फावना.
o. प्रदुशण नियंत्रण उपायाक खातीर जें उदक कवापरतले ताचें प्रमाण निश्चीत करपाक जाय.
p. प.प्र.त. अहवालांतल्या पर्यावरणी वेवस्थापण येवजणेंच्या संदर्भांत अस्तित्वांत नाशिल्ल्या गोवा मुनिसिपल कॉर्पोरेशनाक सांडपाणी हस्तांतरीत करपाचो संदर्भ तांणी दिलो.
q. ऑयल गळटी आडावपा संबंदांत कसलेच उपाय सुचयल्ले नात.
r. आतां मेरेन उपस्थित केल्ल्या मुद्यांच्या आधारान प्रकल्पाक विरोध उक्तायलो.

**24. <u>श्रीमती डॉल्वीन ब्रागांझा, माजोड्डें.</u>**

a. प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून थळाव्या वाठाराची जैव विविधताय नश्ट जातली आनी कोल्या भशेन सामान्य प्राणी लेगीत दिश्टी पडचो ना.
b. तांणी ह्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक आपलो खर विरोध उक्तायला.

**25. <u>ॲड. फा. मायकल फेर्नांडीस, वास्को.</u>**

a. बाधीत लोकांक प.प्र.त. अहवालाची प्रत धरून हेर सगळे दुकुमेंत दिवप हें प्रकल्प प्रस्तावकाचें कर्तव्य आशिल्लें.
b. हे बाबतींतल्या अपेसाक लागून ही भौशीक सुनावणी रद्दबादल थारता.
c. कोळसो हाताळणेक लागून वास्को शारांत खर हवा प्रदुशण जालां.
d. कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशणा खातीर लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलेच यत्न केल्ले नात.
e. राजकारणी लोकांच्या पुराय तेंक्या सयत नियोजन शुन्य उद्देगीक उपक्रमांक लागून कांय अर्थीक नदरेन सशक्त मनीस व्हडा प्रमाणाचेर प्रदुशण करतात.
f. लोकांचे हीत लक्षांत घेतिल्लें ना. दरेका प्रकल्पाचो वेगळो वेगळो न्हय तर तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम मतींत घेवंक जाय. वास्को शारांत कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशण उणें करपाक प्रदुशण नियंत्रण मंडळ कसली कारवाय करता ?
g. प्रकल्प प्रस्तावकाक लागून थळाव्या लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलींच पावलां उबारिल्लीं नात वा ते विशीं अभ्यास केल्लो ना.
h. प्रस्तावीत उपक्रमाक लागून समुद्री पर्यावरण आनी परिस्थितिकीचेर विपरीत परिणाम जातलो.
i. जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून वास्कोंतल्या इंडियन ऑयलीच्या टांकयांक धोको निर्माण जालां. ताचो अहवालांत उल्लेख केल्लो ना.

**26. <u>श्री. अभिजीत साळकार, वास्को.</u>**

a. तांणी प.प्र.त. अहवालाच्या पाठ 8 (8.4.2.) चो संदर्भ दिलो. प्रकल्प सुरू जातकीच बांदकाम सुवाते लागीं फकत तीन भों.ह.गु. तपासणेचीं केंद्रां प्रस्तावीत आसात. तीं उण्यांत उणीं बारा आसूंक जाय आनी बांदकामां वेळार तपासणी करूंक जाय, म्हूण तांणी विरोध केलो.
b. भो.ह.गु. ची तपासणी प्र.नि.मं.न करपाक तांणी विरोध केलो. ती तपासणी बि.स.सं. न करूंक जाय.

c. प.प्र.त अहवालांत तरतूद केल्ले प्रमाण बारा लाखा परस चड निधी तपासणे खातीर उपलब्ध करूंक दिवंक जाय.
d. भो.ह.गु.ची केंद्रां खंय आसतली ते विशीं निश्चीत मार्गदर्शक सुचोवण्यो आसात. देखून तीन तपासणी केंद्रांक तांणी विरोध केलो.
e. जर भो.ह.गु.ची तपासणी चुकली जाल्यार प्र.प्र.चेर गुन्यांवकारी कारवाय जावंक जाय.

**27. श्री. उद्धव पोळ, हेडलँड, सडा.**

a. एम.पी.टी. सद्याक धुल्लमय कोळशो हाताळटात आनी देखून एम.पी.टी.क तुतीकुरी बंदराचेर मनाय केल्या आनी गोंय सोडून हेर खंयच्याच बंदराचेर तांकां मान्यताय ना.
b. एम.पी.टी. बंदरा वयल्या कोळश्याच्या राशींची उंची उणीं आसा जाल्यार कन्वेयर पट्ट्यांचीं गती वारो आडावपी वंटी परस चड आशिल्ल्यान त्यो निरुपेगी थारतात.
c. प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक खर विरोध केलो. आनी एम.पी.टी.च्या कोळसो हाताळणेचेर पुराय बंदी हाडपाची मागणी केली.

**28. श्री. रुइ कोश्ता आरावजो, चिखली.**

a. कोळसो हाताळणी उपक्रमाक लागून साबार जलाशयांनी कोळसो उडयतात. हाका लागून विंडो-पॅन ऑयस्टर (कालवां) खातीर फामाद आशिल्ले चिखली खाडीचें प्रदुशण जाता.
b. प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या विस्ताराक लागून चिखली खाडीचें प्रदुशण जाता.
c. प.रा.मं.च्या मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन केल्ले खातीर आनी प.प्र.त. अधिसुचोवणेक पाळो दिवंक ना म्हूण हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारचो पडटलो.
d. बॅन्थीक जिवावळी संबंदान चुकिची म्हायती अहवालांत आसा.
e. चिखली खाडी परिस्थितिकी नदरेन संवेदनशील वाठार आसा. पूण ताचो प.प्र.त. अहवालांत उल्लेक करूंक ना.
f. ग्रांद आयलँडा लागीं कोरल्स मेळटात ताचो उल्लेख अहवालांत ना. प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून कोळसो हाताळणी वाडिल्ल्यान पर्यावरणाचेर गंभीर परिणाम जातले, देखून प्रकल्पाक विरोध केलो.
g. सद्याच्या प्रकल्पाक लागून जावपी हवा प्रदुशणाची मोलावणी करूंक प.प्र.त. अहवाल अपेशी थारला.
h. प.प्र.त. अहवालाक आनी प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो. हो प.प्र.त. अहवाल रद्द करचो आनी तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत प.प्र.त. अहवाल तयार करून सादर करचो.

**29. श्री. संजय रेडकार, वास्को.**

a. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या ह्या प्रकल्पा विशींच्या फॉर्म I चो संदर्भ दिलो.
b. प.प्र.त. अहवाल फॉर्म I च्या विसंगत आसा.
c. फॉर्म I च्या अ.क्र. 10 भितर वास्को शार 4 कि.मी. आसा अशें म्हणला, प्रत्यक्षांत तें 3 कि.मी. आसा.
d. ह्या प्रकल्पा कडेन ड्रेजिंगाचो संबंद आसा. पूण अ.क्र. 17 भितर ना अशें म्हणला.

e. अ.क्र. 11 भितर ड्रेजिंग करचे नात म्हणला. पूण प.प्र.त. भितर खोलाय 14 मि. वयल्यान 19.8 मि. वाडयतले अशें म्हणला. एम.पी.टी. 60% ड्रेजिंग केला अशेंय म्हणलां.

f. कोळसो प्रदुशणाचो मनशाचेर जावपी परिणाम अभ्यासूंक ना.

g. अ.क्र. 3.2 भितर प्रस्तावीत प्रकल्पाचो मनशाचे जिविताचेर कांयच परिणाम जावचो ना अशें म्हणलां, ताका विरोध केला.

h. फॉर्म I भितर पर्यावरणी संवेदनशील वाठार आनी अधिक्षेत्रांचेर प्रकल्पाचो कांयच परिणाम जावचो ना (अ.क्र. 3.1) अशें म्हणलां, ताका विरोध केला.

i. दुयेंत लोक, भुरगीं, जाण्टी आदी अशक्त लोकांचेर ह्या प्रकल्पाचो कांयच परिणाम जावचो ना. अशें म्हणलां (अ.क्र. 3.4) ताका विरोध केलो.

j. वयले चडशे मुद्दे फटीचें आशिल्ल्यान प्रकल्प प्रस्तावकान बरोवन दिल्ल्या प्रमाण हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारपाक जाय.

k. फॉर्म I भितर चुकीची म्हायती दिल्ल्यान ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.

l. वास्को-द-गामा शारांत आनी ताचे भोंवतणी 1 लाखा परस चड लोक रावतात आनी हवा प्रदुशणाक लागून तांचे भलायकेचेर थेट परिणाम जाता.

m. वास्को नगर पालिकेंत 4 जानेवारी, 2016 दिसाचे एके खाशेले बसकेंत भलायकेच्या धोक्याक लागून वास्को शारांत कोळसो येरादारी  करपाक बंदी घातली.

n. जांचे खातीर तीन भौशीक सुनावण्यो जातात ते तिनूय प्रकल्प एकामेकाक जोडिल्ले आसा. चॅनल खोल करप ही तिनूय प्रकल्पांची सामायीक गरज आसा. आनी सगळ्यांक चॅनलाची खोलाय 14 मी. वयल्यान 19.8 मी. मेरेन व्हरपाक जाय.

o. कोळसो हाताळणी क्षमताय वाड करपाच्या प्रकल्पाक विरोध केलो.

p. फॉर्म I च्या अ.क्र. 7 भितर संरक्षण आस्थापनांचो उल्लेख ना. प्रत्यक्षांत 15 कि.मी. त्रीज्या वाठारांत संरक्षण आस्थापनां आसात आनी सगळ्यांत लागी 1-2 कि.मी. भितर लेगीत आसा.

q. फॉर्म I च्या अ.क्र. 8 भितर हॉस्पिटलां, शाळा, प्रार्थना घरां, समाजीक सुविधा ना अशें म्हणलां. पूण प्रत्यक्षांत 15 कि.मी. त्रिज्या वाठारांत आनी 200-300 मी. वाठारा भितर लेगीत तश्यो सुवातो आसात.

r. 5 तली 4 तपासणी केंद्रां प्रकल्प थळा पासून 50 - 100 मी.चेर आसात. पूण वारें व्हांवता त्या वास्को शारांत एक लेगीत केंद्र ना.

s. प.प्र.त. अहवाल फॉर्म I भितरल्या विसंगतींक लागून भायर मारपाक जाय.

t. प.प्र.त अहवालांत लोक संख्येची दाटाय ना अशें म्हणलां.

u. पूण प्रत्यक्षांत प्रकल्प थळा भोंवतनी दाटायेन लोक संख्या आसा. देखून प्र.प्र.न फटीचें विधान केलां.

v. तांणी प्रकल्पाक विरोध केलो.

**30. <u>श्री. पीटर आंद्राद, वास्को :</u>**

a. प.प्र.त. अहवालांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान केल्ले भौं.ह.गु. तपासणेचे निश्कर्श आस्पाविल्ले नात. प.प्र.त. अहवालांत नमूद केल्ले भौं.ह.गु. चे अहवाल दोशपूर्ण आसात आनी हवा प्रदुशाणाची परिणामकारकतायेन नोंद करपी केंद्राचेर ते घेतिल्ले नात.
b. प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणी/लागी नुस्तेंमारी चलना - हें कंपनीचें विधान चुकीचें आसा. खारीवाडो जेटी वयलीं नुस्तेमारी जहाजां आनी थंयचो वेवसाय हांचें प्रमाण अहवालांत आस्पाविल्लें ना.
c. प्रस्तावीत प्रकल्पा लागी कासयेचीं उपज-केंद्रां नात ह्या प.प्र.त. अहवालांतल्या विधानाक तांणी विरोध केलो. कासयो बायणा दर्यादेगेचेर तांतीं घालतात हाचे पुरावे आसात. चुकीचे तरेन अभ्यास केला.
d. वास्कोंत आनी भोंवतणेच्या वाठारांनी कोळसो उद्देगाक लागून प्रदुशण आसा हें सत्य कोणूय न्हयकारूंक शकना.
e. प्रकल्प प्रस्तावकान भेटयल्लो पुराय प.प्र.त. अहवाल रद्द करचो आनी पुराय कोळसो हाताळणी बंद करची.

**31. <u>श्री. परशुराम शेट्ये, वास्को :</u>**

a. तीनूय प्रकल्प एकूच आसात, पूण तीन दीस भौशीक सुनावण्यो दवरल्यात. हें वास्कोच्या लोकांक छळूंक  आनी त्रास दिवंक मुद्दाम केलां.
b. वास्कोंतल्या लोकांचे भलायकेचेर कोळसो हाताळणेक लागून जावपी परिणामाचो अभ्यास वा सर्वेक्षण केल्लें ना.
c. वास्कोंतल्या कोळसो प्रदुशणा विशीं गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन साबार कागाळी पावून लेगीत तांणी कारवाय करूंक ना वा करूंक कळाव केला आनी प्रदुशण चालू दवरलां. कोळसो हाताळणेंतले वाडी उपरांत प्रदुशण नियंत्रणांत दवरप प्रदुशण मंडळाक शक्य जावचेंना.
d. वास्कोंतल्या लोकांक कोळसो कंपन्या कडल्यान भेटी-भोंवाऱ्यो आनी दुड्डू नाकात, तांकां कोळसो कंपन्यो बंद पडिल्लो जाय.
e. प्र.प्र.क परवानगी दिवपाक तांणी खर विरोध केलो.

**32. <u>श्री. आवेर्तान मिरांदा, पणजी :</u>**

a. प्रकल्पाक तेंको दिवपी एक लेगीत व्यक्ती भौशीक सुनावणेक ना. प्रत्येक जाण प्रकल्पाक खर विरोध करता.
b. वास्कोंतल्या संरक्षण आस्थापनांक ह्या प्रकल्पाक लागून धोको निर्माण जातलो.
c. फुडल्या दोन भौशीक सुनावण्यांनी वांटो घेवपी लोकांक पिवपाच्या उदकाची पुरवण करपाची विनवणी केली.
d. प्र.प्र.क परवानगी दिवपाक तांणी कर विरोध केलो.

**33. <u>सुरेश बर्वे, वाडें, वास्को :</u>**

a. लोकांनी विचारिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांक अध्यक्ष वा कंपनीचे प्रतिनिधी जापो दिनात.

b. लोकांनी विचारिल्ले सगळे प्रस्न आनी हरकतींची नोंद घेवन प्रकल्प प्रस्तावकाक मंजुरी दिवची काय ना, हें थारावपा खातीर ते प.रा. मंत्रालयाक धाडटले, अशी माहिती अध्यक्षांनी दिली.
c. चिखली पंचायतीन ताका प.प्र.त. अहवाल आनी सारांश अहवलाची प्रत दिवंक ना, अशें सांगून चिखली पंचायतीच्या सचिवाचेर कारवाय करपाची मागणी ताणें केली.
d. प.प्र.त. अहवालाची प्रत थळाव्या स्वराज्य संस्थांक थळावे भाशेंत, कोंकणी/मराठी दिवंक नाशिल्ली.
e. ग्रामपंचायतीचे सचिव श्री. नारायण आजगांवकार हांणी आपल्याक प.प्र.त. अहवालाची प्रत दिवपाक न्हयकार दिलो. सेक्रेटरीन ताचो छळ केलो. ताचेर कारवाय करपाची मागणी.

34. **<u>श्री. परशुराम सोनुर्लेकार :</u>**

a. ध्वनी-प्रदुशण तपासणेची पद्दत प.प्र.त. अहवालांत दिवंक ना.
b. अदानी आनी जिंदाल हांचे उद्देग रातींचेच चलतात. हे उद्देग रातचे चलोवपाक तांकां सरकार वा प्रदुशण मंडळान कसली खाशेली परवानगी बी दिल्या ?
c. एन.जी.टी.न अदानी आनी जिंदालाक तांच्या प्रकल्पा भोंवतणी हरीत-पट्टो निर्माण करपाचो आदेश दिल्लो, तो तांणी आजून लेगीत पाळूंक ना.
d. वृक्षलागवड केल्या काय म्हूण तांणी प्रस्न विचारलो.
e. सद्याच्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाक तांणी खर विरोध परगटायलो.

35. **<u>अभिजीत प्रभूदेसाय, वास्को :</u>**

a. ओल्ड क्रॉस नुस्तेमारी समाजान दाखल केल्ले क्र.10 /2016 चे केशीचेर एन.जी.टीन दिल्ल्या निकालाचो संदर्भ दिलो.
b. एन.जी.टी.न कार्गो हाताळपाचे प्रक्रिये बगर कॅपिटल ड्रेजींग करप शक्य जातलें वा ना हाची खात्री करपाक प.रा.मं.क निर्देश दिल्ल्याचें सांगलें.
c. वयल्या गजालींची पुर्तताय केले बगर भौशीक सुनावणी घडोवन हाडप शक्य ना.
d. फॉर्म I प.रा.मं.चे वेबसायटीचेर तशेंच हेर खंयचेच माचयेर उपलब्ध करूंक नाशिल्ले. हें प.रा.मं.च्या मार्गदर्शक सिध्दांतांचें उल्लंघन अशें म्हणूं येता.
e. तांच्या विधाना प्रमाण प्रकल्प प्रस्तावक वा सल्लागारान प.प्र.त. अहवाल तयार करतना प.रा.मं.मार्गदर्शक पुस्तिका तयार करूंक ना.
f. गरजेचें पुर्तताय विधान तयार करूंक ना आनी देखून इ.ए.सी. न संदर्भ संहिता दिवंक जाय नाशिल्ली.
g. रेल्वेचे धांवपट्टेचें दुपदरीकरण करपाच्या मुद्याचेर सुचयल्ले प्रमाण रान आनी वनजीव विभागांची मान्यताय घेवप गरजेचें आशिल्लें, पूण हाची नोंद फॉर्म I त मेळना.
h. तांच्या विधाना प्रमाण, प्रकल्प प्रस्तावकान नकाशे आनी मजकूर प.प्र.त. अहवालांत दिवपाची गरज आशिल्ली, जे दिल्ले नात.
i. प.प्र.त. मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें स्पश्टपणान उल्लंघन केलां.

j. तरी आसताना, प.प्र.त.च्या अहवाला प्रमाण, रेल्वे आनी रस्तो सवलती सुदारल्यात अशें म्हणलां.
k. मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण अहवालांत अस्तित्वांत आशिल्लो पर्याय दिवपाक जाय आशिल्लो. बंदरांच्या रुपान पर्यायी साधनसुविधा पुर्वी दर्यादेगेर आसा .प.प्र.त. अहवाल ह्या मुद्यांचेर मौन आसा.
l. प.प्र.त.अहवालांत दोन दिसांच्या समुद्री जिवनशास्त्रा अभ्यास सोडल्यार मुळावे माहितीचें संकलन जावंक ना.
m. मार्गदर्शक पुस्तिकेंत जमनीची मुळाधार माहिती आनी लोकसंख्ये संबंदीची माहिती अहवालाचो भाग आसपाची गरज आशिल्ली. तरी लेगीत प.प्र.त.चो अहवाल ह्या विशयाचेर दुर्लक्ष करता .
n. आकृताय नकाशे आनी स्थलवर्णन माहिती अहवालांत आसप गरजेचें आसून लेगीत ती अहवालांत ना.
o. प.प्र.त.च्या अहवालांत भूंयगर्भी तपशील दिल्ले ना.
p. उत्खनन केल्ले जमनीच्या धा मिटर पोंदच्या मातयेचे भूंयतंत्रीक गुणधर्म अभ्याशिल्ले नात.
q. सोद वाठारांतल्या उदकाच्या दर्जाचो विचार जावंक ना.
r. मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण थरावीक खोलायेचेर उदकाचे नमुने काडपाचें काम प.प्र.त.अहवालांत करूंक ना.
s. प.प्र.त.अहवालांत जाल्लो क्षेत्र अभ्यास खंयचेच शास्त्रीय धर्तरेचेर जाल्लो ना.
t. प.रा.मं.मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण वनस्पत आनी प्राणी अभ्यास करप सक्तिचें आसून लेगीत करूंक ना तशेंच प.प्र.त.अहवाला प्रमाण अभ्यास क्षेत्रांतली कसलीच महिती एकठांय केल्ली ना.
u. प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणेच्या वाठारांतल्यो वसाहती ,शाळा ,रुग्णांलयां आनी हेर आस्थापनांचो अभ्यास जावंक ना.
v. संबद्ध समाजीक आनी अर्थीक माहिती प.प्र.त.अहवालांत आसपाविल्ली ना आनी उपलब्द आशिल्ली माहिती 2011 जनगणनेंतली आसा.
w. प्रकल्पाचे लागीं आशिल्ले रस्ते आनी रेल्वे पट्ट्यांची नोंद घेतिल्ली ना.
x. ह्या प्रकल्पाक लागून दाबोळे विमानतळाच्या वेव्हाराचेर परिणाम जातलो.
y. ह्या प्रकल्पाचो नुस्तेकार आनी दर्यातल्या पर्यावरणाचेर जावपी प्रभावाच्या परिणामांचें मुल्यांकन अहवालांत पळोवंक मेळना.
z. खर्च आनी फायद्याचें मुल्यांकन जावंक ना.
aa. फॉर्म I चुकीची माहिती दिवन भरलां.
bb. ह्या प्रकल्पाचे सुवातेच्या धनीपणाचो मुद्दो उच्च न्यायालयांत आसा तरी आसताना फॉर्म I त कसलीच कायदेशीर समस्या ना, अशी नोंद केल्ली आसा.
cc. फॉर्म I त नोंद केल्ले प्रमाण भूंय उत्खननाची गरज ना, पूण एम.पी.टी.न उत्खनन पयलींच केलां.

dd. तांच्या विधान प्रमाण कोळसो हाताळपाची तांक वाडयतले जाल्यार आमकां सुधारीत आनी विस्तारीत साधनांची गरज पडटली.

ee. कोळसो हाताळणेचो प्रभाव सरळ स्वासा संबंदीच्या दुयेंसां कडेन जोडूं येता .पूण प्रकल्प प्रस्तावकान फॉर्म I त हो मुद्दो न्हयकारला.

ff. प्रकल्प प्रस्तावकान ह्या प्रकल्पाचो मनश्यांच्या जिवन शैलीचेर कसलेच प्रकारचो प्रभाव पडचो ना अशें म्हणलां. पूण हें चुकीचें आसा. ह्या प्रकल्पाचो थेट प्रभाव नुस्तेकार आनी वास्को शारांत रावपी लोकांचेर जातलो.

gg. ओल्ड गोवा ही वारसो वास्तू ह्या प्रकल्पाच्या 15 कि.मी. क्षेत्रा मदीं आसा. प्रकल्प प्रस्तावकान हें लिपोवपाचो प्रयत्न केला.

hh. प्रकल्प प्रस्तूत करतल्यान हो प्रकल्प दाट लोक वस्तेंत आशिल्ल्याचें न्हयकारलां .ही एक स्पश्ट फट आसा, कारण हो प्रकल्प वास्को शारांत पडटा.

ii. प्रकल्प प्रस्तावकान सद्याचो प्रकल्प प्रदुशण करता हें न्हयकारला. ही फट आसा कारण प्र.नि.मंडळान म्हणलां ते प्रमाण जे.एस.डब्ल्यु.न हाताळिल्ल्या कोळश्याक लागून प्रदुशण जाता.

jj. कोळसो हाताळणी आनी साधन सुविधा वाडोवपाचो निर्णय सामान्य मनशां कडल्यान लिपोवन दवरलां .हें संविधानांतले तरतुदीचें उल्लंघन थारता.

kk. प्रकल्प प्रस्तावकाचो पुर्व इतिहास बरो ना. पयले सुवातेर जे.एस.डब्ल्यु. चेर बेकायदेशीर कोळश्याच्या उपक्रमा खातीर कारवाय जाल्ली .दुसरे सुवातेर ,जे.एस.डब्ल्यु आड खारफुटी कातरपा संबंदान गुन्यांवकारी खटलो दाखल जाला .तिसरे सुवातेर, 8 बँकांनी जे.एस.डब्ल्यू. चेर तांचे 7000 कोटी रुपया वसूल करपा खातीर कारवाय सुरू केल्या.

ll. ओ.एस.एच.ए.एस. न जे.एस.डब्ल्यु. क उल्लंघना खातीर 1 लाख डॉलर्सां वयर दंड दिला.

mm. जे.एस.डब्ल्यु. कडेन पुर्वी दर्या धडेर फावोशीं साधन सामुग्री आसा, पश्चिमी दर्यादेगेर फकत सुवार्था खातीर ती सक्रीय आसा.

nn. प.प्र.त. अहवाला प्रमाण धरिल्ल्या नुस्त्याचें प्रमाण व्हडा प्रमाणांत देंवूंक लागलां .हो प्रकल्प आयल्यार हें प्रमाण आनीक देंवतलें .

oo. रेल्वे रुळाचें दुपेटीकरण लोकांच्या आनी भौशीक हिताच्या आड आसा.

pp. प.प्र.त. अहवालांत भुगर्भीय माहितीचो आसपाव ना, सड्याची दोंगुरले वाटेनची धड कोंसळपाच्या मार्गार आसा.

qq. आयचे भौशीक सुनावणेक आपणायल्ल्या प्रक्रियांक कायदेशीर मान्यताय ना.

rr. प.प्र.त. अहवाल हवामान बदलाच्या प्रस्नाचेर कांय उलयना.

ss. ह्या प्रकल्पा भाशेन हेर उपक्रम लागसार ना, हें प्रकल्प प्रस्तावकाचें विधान फट आसा, हाचें कारण ह्या प्रकल्पाक तेंकुनूच अदानीची कोळसो हाताळणी कंपनी आसा. वॅपकोस ह्या सल्लागारान भौशीक सुनावणेच्या तिनूय प्रकल्पांचो अभ्यास केला, हे तिनूय प.प्र.त. एका सारकेच आसात.

tt. कसलोच संदर्भ दिनासताना अहवालांत आधाराविणें विधानां केल्यांत आनी माहिती संकलनाची पद्दत चुकयल्या. प.रा. मंत्रालयान ह्या सल्लागाराक काळ्या यादींत घालचो अशी मागणी तांणी केली. मुळाधार माहिती धोक्यांत आयिल्ल्या जल-जिणे विशीं कांयच उलयना. प.प्र.त. अहवालां 90 प्रजातींचो उल्लेख केला, प्रत्यक्षांत मात हांगां 400 प्रजाती आसात.

uu. नुस्तेमारीचेर आनी जुवारी न्हयेंतल्या प्रदूशणा विशीं एन.आय.ओ .चो अहवाल हे सारखेल्या दुय्यम माहितीचो विचार प्र.प्र.न करूंक ना. घ.क. 2.5 आनी घ.क. 10 हांच्यो नोंदी जायतश्यो बरयल्यात. प्रतिबंधात्मक तत्वां आनी चिरस्थायित्व हांचे विशीं हो अहवाल कांयच सांगिना. हाचे वयल्यान सल्लागाराचो पुर्वग्रह दिश्टी पडटा.

vv. ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक ताणें खर विरोध केलो.

**36. <u>इनासियो डायस, नावेलीं :</u>**

a. प्रकल्प प्रस्तावकान एके गुन्यांवकारी यंत्रणे वरवीं हो प.प्र.त. तयार केला. हे यंत्रणेची चौकशी जावन तिका काळे वळेरेंत घालपाक जाय.

b. प्र.प्र.न फॉर्म I वयले वयर भरला. आयची सुनावणी घेवचे पयली प्र.नि. मंडळान हो अहवाल नियाळूंक जाय आशिल्लो .

c. प्रस्तावीत प्रकल्प रद्द करूंक जाय.

d. अभिजीत प्रभुदेसाय हाका प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचेर नेमपाक जाय. प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अधिकारी अकार्यक्षम आसात. बारीकसाणेन अभ्यास करून सत्य उक्ताडार हाडलें, हाजे खातीर ताणें अभिजीत प्रभूदेसायाची तुस्त केली.

e. प्र.नि. मंडळान फकत आयचे सुनावणेचें इतिवृत्त प.रा. मंत्रालयाक धाडिनासताना ह्या प्रकल्पा विशीं आपलो शेरो लेगीत धाडपाक जाय.

**37. <u>मॅगी सिल्वेरा, अध्यक्ष, भारत मुक्ती मोर्चा, गोवा युनीट :</u>**

a. प्र.प्र.आनी सरकारी अधिकारी हांणी गोंय काबार करूंक हात मेळोवणी केल्या.

b. वास्कोच्या लोकांक त्रास दिवपा खातीर गों.रा.प्र.नि.मं. न तीन दीस सेगीत भौशीक सुनावणी दवरल्या.

c. प्रस्तावीत उपक्रमाक हजारांनी करोड लिटर उदक वापरतले.

d. प्रस्तावीत प्रकल्पाचो गोंयकारांक कसलोच फायदो ना.

e. हो प.प्र.त. अहवाल एक दोशपुर्ण दुकूमेंत आसा.

f. गो.रा.प्र.नि.मं. न आयचे सुनावणे पयलीं हो अहवाल तपासूंक जाय आशिल्लो.

g. उदक एक गरज ,फोल्ग न्हय. उदक ही आमकां सगळ्यांक मेळिल्ली एक देण. फकत उजो पालोवपाक जिंदालाक दिसाक सात लाख लीटर उदक लागतलें. म्हळ्यार वर्साक 3,28,500, 0000 इतलें लिटर उदक वर्साक कंपनीक लागतलें.

h. जेन्ना उदकाचे टॅंकर येतात तेन्ना एका कुटुंबाक 200 लिटर उदक लेगीत मेळना. तशेंच शाळेंतल्या भुरग्यांक नितळसाणे खातीर लेगीत उदक मेळना. पूण जिंदाल मात मनीसपण काबार करपा खातीर उदक वापरतलो.

**38. <u>जुजे फिलीप डिसौजा, खारीवाडा वास्को :</u>**

a. पुलिसांनी भौशीक सुनावणेक आयिल्ल्या लोकांक उदक हाडपाक आडायले ते खातीर विरोध केलो.

b. वास्कोकारांक तेंको दिवपाक पुराय गोंयांतल्यान लोक आयिल्ले आसात. पूण वास्कोचो आमदार आनी वास्कोचो नगराध्यक्ष मात हाजीर रावूंक नात.

c. वास्को शार फाटल्या कितल्याश्याच वर्सां सांवन हवा प्रदुशण भोगता आनी आयज दर्या लेगीत प्रदुशीत जाला.

d. एम.पी.टी. येवच्या पयलीं थळावे नुस्तेकार वास्कोंत रावताले .पूण आयज एम.पी.टी वास्कोकारांचो छळ करता.

e. खारी वाड्या लागीचो दर्या, कोळसो हाताळणी प्रकल्पाक लागून पुराय रितीन प्रदुशीत जाला.

f. अदानीन हो प्रकल्प पुराय रितीन सुरू केलो जाल्यार वास्कोंतलें प्रदुशण 200 टक्क्यांनी वाडटलें.

g. बर्थ 11 चेर आतां वुडन चिप्सांची हाताळणी जाता .ह्या चिप्सांक लागून थळाव्या नुस्तेकारांचे भलायकेचेर परिणाम जाता.

h. फाल्यांची भौशीक सुनावणी ड्रेजिंगा खातीर जातली जाका लागून ह्या वाठारांत भूंयस्खलन जातलें.

i. सरकाराची जापसालदारकी लोकांची भलायकी पळोवपाची आसता ,कंपन्यांचो फायदो न्हय.

j. आनीक एक प्रस्ताव खारीवाड्याच्या फाटल्यान कार्गो हाताळणे खातीर भेटयला.

k. वास्को शारांत कोळसो हाताळणेक लागून सेगीत प्रदुशण जाता.

l. वास्कोकार वास्कोंतली कोळसो हाताळणी पुराय रितीन थारले बगर कशेच वोगी बसचेनात.

m. लोकांनी मांडिल्लीं सगळीं मतां नोंद करून तीं प.रा. मंत्रालयाक धाडून दिवपाची विनवणी तांणी केली.

n. वास्कोंतलें कोळसो प्रदुशण आडावपाक प्राधान्य दिवपाक जाय.

o. कोळश्याच्या धुल्लाक लागून वास्कोंत जायते अपघात लेगीत घडटात .

p. कोळसो प्रदुशण थांबयलें ना जाल्यार लोक एक व्हड आंदोलन उबे करतले.

q. प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक तांणी खर विरोध केलो.

**39. <u>जॉन फेर्नांडीस, बाणावले :</u>**

a. गेटीचेर पुलीस उबे राविल्ल्या खातीर ताणी विरोध केलो.

b. पुलीस कंपनीची राखण करपाक आयल्यात, असो आरोप तांणी केलो.

c. सुनावणेचे सुरवेक जें सादरीकरण केलें तें सल्लागारान केलां, हें सांगून आयज एम.पी.टी .चे अधिकारी कित्याक हाजीर नात, असो प्रस्न तांणी केलो.

d. तीन वेगवेगळ्यो भौशीक सुनावण्यो कित्याक जाय आशिल्ल्यो.

e. प.प्र. न लोकांच्या प्रस्नाक जापो दिवंक नात, हाचो तांणी विरोध केलो.

f. भौशीक सुनावणेचे बसपाचे वेवस्थेचेर उलयतना एके वटेन लोक आनी दुसरे वटेन अधिकारी आनी प.प्र. चे प्रतिनिधी अशी वेगळी वेगळी वेवस्था केल्ले खातीर तांणी विरोध केलो.
g. नुस्तेकार संघटनेन एन.जी.टी. कडेन केस घातिल्ले खातीर तांणी तांची तुस्त केली .ह्या प्रकल्पाक लागून गरीब नुस्तेंकार आनी जल पर्यावरण दोनूय नश्ट जातले.
h. दोशपुर्ण सादरीकरणाक लागून तांणी प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो. तशेंच वेपकोसाक लेगीत तांणी विरोध केलो.
i. ह्या प.प्र.त अहवालांत चुकिची माहिती घातल्या, सामान्य मनीस, नुस्तेंकार हांचे जिणेचेर ह्या प्रकल्पाचो कितें परिणाम जातलो ते विशीं अहवालांत कांय सांगिल्लें ना.
j. हवा, उदक आनी माती हांचेर कसलोच परिणाम जावचो ना अशें विधान प.प्र.त. अहवालांत केलां, तें फट आसा.
k. स.स.ला.(सी.एस.आर.) करून पर्यावरणी प्रदुशणाची भरपाय जावची ना.
l. कोळश्या सारक्या जिवाश्म इंधनाच्या वापराक लागून प्र.प्र. पर्यावरणाक बाधा हाडटलो.
m. भूंयथळी परिस्थितिचेर कसलोच परिणाम जावचो ना अशें विधान अहवालांत केलां, ताचेकडेन तांणी असहमती दाखयली. तशेंच ह्या प्रकल्पांत ड्रेजींग आनी पुनर्वसन हांचो आसपाव ना, हें विधान लेगीत चुकीचें आसा. गोंयांतल्यान कोळसो कर्नाटकांत व्हरपाक एक खाशेलो रेल्वे ट्रॅक कंपनी खातीर बांदतात.
n. राज्य सरकार हे कंपनीक तांकां जाय तशें करूंक मान्यताय दिता.
o. हे भौशीक सुनावणेंत एकाय मनश्यान प्रकल्पाच्या फावरार उलोवप करूंक ना.
p. प्रस्तावीत प्रकल्पाक ताचो खर विरोध आसा आनी कोळसो हाताळणी थांबोवपाक बेगोबेग पावलां उबारचीं.
q. गोंयां भायल्या उद्देगांनी वापरिल्लो कोळसो गोंयांतल्यान व्हरपाक जायना.
r. प्रकल्प प्रस्तावकान ह्या वाठाराचे भलायकेचो कसलोच अभ्याक करूंक ना.
s. कोळसो प्रदुशण थांबोवंक ना जाल्यार गोंयकार आंदोलन करतले. पुराय प्रस्तावीत प्रकल्पाक ताणी खर विरोध केलो.

**40. <u>सिरील ए. फेर्नांडीस, आल्त चिखली :</u>**

a. प.प्र.त अहवाल आनी कार्यकारी सारांश प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतल्या बारीक पंचायतींक दिवंक ना. ही भौशीक सुनावणी ताका लागून फुडें ना धुकलपाच्या अध्यक्षांच्या निर्णयाक तांणी विरोध केलो. हाका लागून त्या बाधीत गांवांक आपलीं मतां मांडपाच्या अधिकारा पासून वंचीत केल्यात, हें प.प्र.त. मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन आसा.
b. हाचे आदीं एक फावट प्रदुशण नियंत्रण मंडळान चुकिची तारीख थारायल्ल्या खातीर आनी दुसरे फावट सुनावणेची सुवात ल्हान आशिल्ली म्हणून दोन फाचटी ही सुनावणी फुडे धुकल्ल्या.
c. लोक सदांच सुनावणेंत वांटेकार जावपाक इत्सूक आसले.
d. 30 दिसां भितर लोकांनी हरकत घेवंक ना हाजो अर्थ ते आयज हरकत घेवपाक अपात्र थरनात.

e. बाधीत गांवांक प.प्र.त. अहवाल आनी सुचोवण्यो धाडपाच्या कामांत प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आळसाय केल्या.
f. मुळावो अभ्यास प्रकल्प सुवाते पासून 5 कि.मी .भितर जाल्यार दुय्यम अभ्यास 15 कि.मी. भितर करूंक जाय आशिल्लो.
g. ह्या अहवालांत तसो अभ्यास करूंक ना. (भाग 1.6 (आनी देखून हो अहवाल भायर मारपाक जाय.
h. एम.पी.टी. करूंक सोदता त्या ड्रेजिंगांच्या वावराचो ह्या प्रकल्पा कडेन नाळी सारको संबंद आसा.
i. प्रकल्प प्रस्तावक हाचे आदीच कोळसो हाताळणेच्या वेवसायांत गुंतला आनी देखूण तांणी 15 कि.मी.चो अभ्यास करूंक जाय आशिल्लो.
j. ह्या अहवालांत वाऱ्याच्या दिशे संबंदांत जायत्यो विसंगती आसात आनी वातचक्र दिल्लें ना.
k. भौं.ह.गु.त. अहवाल चुकीचे पद्दतीन दिला आनी प.रा. मंत्रालयाच्या सुचोवण्यां प्रमाण तो एका वर्सा खातीर करिनासताना फकत तीन म्हयन्यां खातीर केला, देखून ह्या अभ्यासाचेर पातयेवपाक मेळना.
l. ह्या अहवालांत मुळावी माहिती चुकिची आसा. तातूंत बायणा दर्या देगेर तांतीं घालपी कासयेचो उल्लेख ना, तशेंच नुस्तेंकारांची लोकसंख्या चुकयल्या.
m. ह्या अहवालांतल्यान भायर दवरिल्ल्या साबार गांवांची वळेरी तांणी वाचून दाखयली आनी देखून त्या गांवांचेर जावपी प्रभाव अहवालांत दाखोवंक ना अशें म्हणलें.
n. पाठ 4 परिच्छेद 2.2 भितर ह्या प्रकल्पांत ड्रेजिंग पुनर्वसन आनी दर्यांतलें बांदकाम आसचें ना अशें म्हणलां.
o. ह्या विधानाक तांणी विरोध केलो आनी ह्या प्रकल्पाक ड्रेजिंग गरजेचें आसा अशें सांगलें.
p. प्रकल्प सुरू जाले उपरांत जेटी वयलो कोयर, जहाजांतलो कोयर ,कारगोंतलो कोयर, कोळश्यांचें आनी स्टॅक यार्डांतलें सांडपाणी, घरगुती सांडपाणी आनी बर्थां वयलें सांडपाणी हांचो विलो लायतले अशें म्हणलां, हें सगळें सांडपाणी एका सांठवण फोंडांत साठयतले ,ताचेर प्रक्रिया करतले आनी जो स्लज तयार जाता तो गांवच्या लोकांक इंधन म्हूण वापरपाक दितले अशें म्हणलां (4.11). प्रकल्प प्रस्तावका कडेन फाटलीं 10 वर्सां अश्यो सांडपाणी टांक्यो आसात व्हय? तशेंच इतल्या वर्सा निर्माण जाल्लो स्लज तांणी खंयच्या गांवकारांक विकलो तांची वळेरी दिवची अशी मागणी तांणी प्र.नि.मं.क मंडळा कडेन केली.
q. प्र.नि. मंडळाच्या अधिकाऱ्यान ही माहिती लिखीत स्वरूपान फाल्यां दितले अशें सांगलें.
r. कोळश्याच्यो राशी एके विशिश्ट उंचायेच्योच आसतल्यो. हीं सगळीं केंद्रां धापून दवरतले? राशींची उंची कितली आसतली? अशे प्रस्न ताणी मंडळाक विचारले.
s. कोळसो हाताळणेक लागून हवा प्रदुशण जातलें अशें अहवालांत मान्य केलां.
t. हवा प्रदूशण आनी वातचक्र हांचो अभ्यास तीन म्हयन्यां खातीर न्हय तर एका वर्सा खातीर करचो पडटा.
u. अहवालांत प्रकल्पा लागीं नुस्तेंमारीचो कसलोच उपक्रम ना अशें म्हणलां.

v. प्रकल्पा लागीं वास्को फिशींग जेटी ना अशें चुकीचें विधान केलां.

w. ह्या विधाना खातीर प्रकल्प प्रस्तावकाचेर गुन्यांवकारी कारवाय जावपाक जाय.

x. आपल्याक प्रकल्प प्रस्तावकान केल्ले जलजिणेचेर आनी नुस्त्याचेर कसलोच परिणाम जावचो ना हें विधान मान्य ना.

y. पान 5 ते 14 मजगतीं कोळश्यांच्या राशींचेर उदक फवारणी केल्ल्यान कसलोच रेबो / लिचेट निर्माण जावचो ना अशें म्हणलां. प्र. प्र. न फाटलीं 10 वर्सां बर्थ 5ए आनी 6ए चेर कोळश्याच्या राशींचेर मारपा खातीर कितलें उदक मारलां ताजो तपशील ताणी प्र.दू. मंडळाक विचारलो.

z. कोळश्याच्या राशींक लागपी उजो पालोवपा खातीर केन्ना केन्ना उदक लागतलें ह्या प्रस्तावकाच्या मताक तांणी विरोध केलो.

aa. अहवालांतल्या ह्या परिच्छेदा संबंदान ताणी प्र.नि.मंडळाक मत विचारलें.

bb. कोळश्यांच्यो राशी तडपत्रेन धापून दवरतात अशें विधान प्रकल्प प्रस्तावकान केलां, तें सद्दयाच्या प्रकल्पा खातीर काय मुखा वयल्या असो प्रस्न ताणी मंडळाक विचारलो.

cc. कोळश्याच्या धुल्लांत जड धातूंचें संदुशण आसता जाचो वास्कोकारांचे भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर परिणाम जातलो.

dd. अहवालांत प्रस्तावीत हरितपट्ट्या विशीं जें म्हणलां तें आदल्या अहवालांतल्यान कॉपी मारलां.

ee. अहवालांत खंयच प्रकल्पा खातीरचो अदमासी खर्च दिल्लो ना.

ff. स.स.जा. खातीर कंपनी कितलो निधी दवरता? ह्या प्रस्नाक जाप दितना प्रकल्प प्रस्तावकाक एकूण नफ्याच्या 2 टक्के अशी जाप दिली. ताका विरोध करताना प्र.प्र.क पर्यावरणीय वेवस्थापनाचो खर्च स.स.जा खातीर दाखयल्ल्या बद्दल तांणी हरकत घेतली. तांणी सांगलें पर्यावरणाचे वेवस्थे खातीरचो निधी स.स.जा. तल्यान येता.

gg. कंपनी जर फायदो करिना जाल्यार ती स.स.जा. खातीर खंयचे पयशे हाडटली?

hh. स.स.जा. खातीर खर्च केल्ले रकमे विशीं पाठ 9 भितर जे आंकडे दाखयल्यात तांकां ताणी खर विरोध केलो.

ii. आमी स.स.जा .कडेन पर्यावरण वेवस्थापन येवजण जोडिल्ली ना अशें प्र.प्र .न जाप दितना सांगलें.

jj. प्र.नि. मंडळाक पर्यावरणाची राखण करूंक अपेस आयलां, देखून लोकांक व्हडा संखेन रस्त्यार येवचें पडटा.

kk. तीन दीस, तीन वेगवेगळ्यो सुनावण्यो घेवपाच्या निर्णयाक ताणी विरोध केलो.

ll. ताचेर जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी कोर्टाच्या निर्णयाक लागून तशें करचें पडलें अशें सांगलें .

mm. संदर्भ सहिते भितर जायतें उल्लंघन दिश्टी पडटा, तें अशें-

- सं.सं. 3 प्रमाण लिचेटाचें प्रमाण थारायल्ले ना.
- सं.सं. 4 प्रमाण कार्गो हाताळणेचे तपशील आनी माहिती दिल्ली ना.

- सं.सं. 8प्रमाण नुस्तेमारी उपक्रमाचे तपशील दिवंक नात. नुस्तेमारीचेर प्रभाव जावचो ना ह्या विधानाक विरोध केला.
- सं.सं. 10 भौं.ह.गु. अभ्यास फकत तीन म्हयन्यां खातीर केला.
- सं.सं.11 प्रमाण कोर्टांत केशी चल्ल्यात तांची माहिती सुनावणेंत दिवंक ना.
- सं.सं. 12प्रमाण कोळश्याची हाताळणी वाडोवपा खातीर रेल्वे आनी रस्त्याचे जोडणेची गरज प्रकल्प प्रस्तावकान मान्य केल्या पूण वाडीव येरादारीचो पश्चीम घाटाचेर कितें परिणाम जातलो ताची माहिती अहवालांत दिल्ली ना.

nn. कंपनीन प.रा. मंत्रालयाच्या नियमांचें उल्लंघन केलां. ज्या दिसा नमुने घेतल्यात, त्या दिसाची तारीख घातिल्ली ना. प्रस्तावकान फकत दोन दीस जलजिणेचो अभ्यास केला, तो असो करप शक्य ना.

oo. हो प्रकल्प परिस्थितिकी संवेदनशील वाठाराच्या 5 कि.मी. अंतरा भितर पडना, ह्या प्रकल्प प्रस्तावकाच्या विधानाक विरोध केलो. ताणें सांगलें, चिखली खाडी ह्या प्रकल्पाच्या 5 कि.मी. त्रिज्या वाठारांत आसपावता आनी थंयच्या विंडोपॅन ऑयस्टर्स (कालवां) हीं वन्यजीव संरक्षण अधिनियमाच्या संरक्षीत प्रजातीं भितर पडटात, पूण हे गजालीचो उल्लेख अहवालांत करूंक ना, तशेंच प.रा. मंत्रालयाचे नदरेक हाडून दिवंक ना, देखून हो अहवाल भायर मारपाक जाय.

pp. अभ्यास वाठारांत कोरल्स (पोवळीं) मेळ्ळयांत. दोशपूर्ण फॉर्म-I भरिल्ल्यान ह्या आदाराचेर सं.सं. जारी केल्यात.

qq. अध्यक्ष, जे दक्षिण गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन समितीचे सदस्य-सचीव आसात, तांकां ऑयल टांकयांक उजो लागल्यार आपत्ती वेवस्थापनाचे कसले उपाय आसात काय म्हूण प्रस्न विचारलो. प्रकल्प थळाचे शिमेचेर 28 पेट्रोलियम टांकयो आसात, तें प्र.प्र.न उक्तें करूंक ना.

rr. आपत्ती वेवस्थापना खातीर थळाचेर आनी थळा भायर करपाची येवजण तयार आसा, अशें अध्यक्षांनी सांगलें. ताचेर वास्को शारांत अशे तरेच्या आपत्ती वेवस्थापना खातीरचे आशिल्ले सज्जतायेचे तपशील दिवपाची तांणी मागणी केली.

ss. वास्को टायम बॉंबाचेर बसलां आनी देखून आपत्ती वेवस्थापनाक प्राधान्य दिवपाक जाय. कोळश्याचे राशीं कडल्यान 10 मी. चेर प्रचंड अमोनिया टांकी आशिल्ल्यान ह्या वाठारांत उज्याचो धोको आसा.

tt. प.रा.मं.च्या बंदरां खातीरच्या नेमावळीचो संदर्भ दिवन, तिचे प्रमाण प्र.प्र.न संरक्षीत पारिस्थितिकी आनी संवेदनशील अशा 15 कि.मी.च्या भोंवतणीच्या वाठारांचे तपशील सादर करूंक जाय आशिल्ले.

uu. 15 कि.मी. अंतरा भितर ओल्ड गोवा चर्च, सलीम अली पक्षी अभयारण्य, रीश मागूश किल्लो, चिखली हांगाचे मॅगालिथीक केव्हस, सांकवाळची अवर लेडी ऑफ हॅल्थ चर्च आनी वेर्णेचे मॅगालिथिक्स हांचो आसपाव जाता.

vv. परिस्थितिकी संवेदनशील वाठारांच्या संदर्भांत चिखली खाडी, मांडवी खाडी ह्या प्रकल्प सुवाते पसून 15 कि.मी. वाठारांत पडपी सुवातींचो उल्लेख तांणी केलो.

ww. 15 कि.मी. वाठारांतलीं संरक्षण आस्थापनां, गोवा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ, आयएनएस गोमन्तक, आयएनएस हंसा, बांबोळेचें एम.टी.आर. हांचोय उल्लेख कंपनीन करूंक ना.

xx. 10 कि.मी त्रिज्या क्षेत्रांत सी.आय.एस.आर. प्रयोगशाळा, एन.आय.ओ. पडटा. प.प्र.त. अहवाल तयार करूंक एन.आय.ओ. कडेन कित्याक संपर्क सादूंक ना?

yy. 10 कि.मी त्रिज्या क्षेत्रांत जिल्लो बंदखण, इंडियन मॅरिटायम इन्स्टिट्यूट, जैवीक वाठार पडटात, तांचो प्र.प्र.न उल्लेख करूंक ना. प्रकल्पाच्या लागींच व्हडा संख्येन शाळा आनी हॉस्पिटलां आसात.

zz. त्या वाठारांतल्या व्हडा संख्येन आशिल्ल्या दर्यादेगांचीय वळेरी प्र.प्र.न दिवंक ना. प.प्र.त अहवालांत ती ना. हेडलँड सडा हांगा भूंयस्खलन जाता आशिल्ल्यान ती 'सैमीक आपत्ती प्रवण क्षेत्रांत' पडटा.

aaa. प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या सामके लागीं 28 पेट्रोलियम सांठवण टांकयो आनी 5000 टनांची अमोनिया टांकी आसा, जांचो उल्लेख प्र.प्र.न करूंक ना.

bbb. हो प.प्र.त. दोशपूर्ण आशिल्ल्यान तो परतो करपाक जाय.

ccc. ह्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाक खर विरोध.

ddd. प्रस्तावीत प्रकल्प मंजूर जाल्यार कोळसो प्रस्नाक लागून कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न निर्माण जातलो.

eee. अदानी आनी जिंदाल 15 द.ट. कोळश्याची हाताळणी करता जाल्यार वेदान्त 5 द.ट. हाताळणेक सुरवात करतलो जाल्यार अदानीय बी विस्तार करतलो.

fff. क्रूज-बोटी (जलयात्रा जहाजां) आनी कोळसो प्रकल्प एकाच वांगडा आसूंक शकनात. एमपीटीन क्रूज बोटींचेर लक्ष दिवचें, कोळसो हाताळणेचेर न्हय. मुरगांव नगरपालिकेन शारांतली कोळसो हाताळणी बंद करपाचो थराव केला. ह्या विशयांत प्र.नि. मंडळान हस्तक्षेप करूंक जाय.

ggg. तांणी अध्यक्षां कडेन पावर पॉयंट सादरीकरण करपाक दिवपाची विनवणी केली. प्र.प्र.क आपल्या उपक्रमा विशीं सादरीकरण करपाक दिल्या, तशीच परवानगी भागीदारांक लेगीत दिवची आनी लोकांक प्रकल्पा विशीं माहिती दिवपाची संद दिवची. हो प्रस्न मंडळान प.रा.मं. कडेन उपस्थीत करचो.

**41. <u>ॲड. सुनिल लोरान, वास्को, वास्को एडवोकेटस् एसोसियेशनाचो पदाधिकारी :</u>**

a. कोर्टाच्या परिसरांत भोवच कोळसो धुल्ल प्रदुशण आसा आनी तें बार रुमांत लेगीत दिश्टी पडटा. वास्को शारांतलें कोळसो प्रदुशण भोवच वाडलां आनी तें नियंत्रीत करपाक कारवाय करूंक जाय.

b. थळाव्या नुस्तेमारां कडेन सल्लो मसलत करून समुद्री-परिस्थितिकी विशीं विस्तृत अभ्यास करूंक जाय.

c. मंडळान फाटल्या तीन वर्सांत तपासणेच्यो भों.ह.गु. नोंदी जाणा जावपाची इत्सा परगटाली. डिसेंबरांत भों.ह.गु. स्तर चड आसात अशी माहिती मंडळाच्या पदाधिकाऱ्यांनी दिली.

d. प्र.प्र.न ताचें स्पश्टीकरण दिवंक ना आनी तांकां लागपी व्हडा प्रमाणांतलें उदक ते खंयच्यान हाडटलें, तें सांगूंक ना.
e. वास्कोंतलें कोळसो प्रदुशण थारावपाक प्र.नि.मं.न बेगोबेग कारवाय करची.
f. कोळसो भोवच ज्वलनशील आसा आनी उजो लागपाचो तो व्हड धोको जावन आसा.
g. येरादारी अवस्थे विशीं अभ्यास करूंक ना. ट्रक सुमारा भायर भरप आनी एमपीटीच्या ट्रकांनी नियमांचें केल्लें सेगीतचें उल्लंघन तांणी नमूद केलें आनी अंतीम दस्तावेजांत ताचो आसपाव करपाची सुचोवणी केली.
h. पर्यटन आनी नुस्तेमारी आमचे अर्थ-वेवस्थेची बुन्याद आसा आनी तिचेर कोळसो प्रदुशणाचो परिणाम जाता.
i. वॅप्कोसान कंपनी सोयिस्कर असो प.प्र.त. अहवाल तयार केला आनी हो भ्रश्टाचार गोंयचेर थापला.
j. प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.

**42. <u>शंकर पोलजी, मुरगांव :</u>**

a. भौशीक सुनावणेची बसका वेवस्था करतल्यांक विरोध केलो.
b. एम.पी.टी. अधिकारी उपस्थीत ना, म्हूण विरोध केलो.
c. केंद्र सरकार गोंयचेर प्रकल्प थापूंक शकना, हें आपूण केंद्र सरकाराक सांगूंक सोदता.
d. मुरगांव तालुक्यांतल्या लोकांचेर सगळ्यांत चड प्रभाव पडला.
e. वास्कोची सद्याची अवस्था सरकारी अधिकाऱ्यांचे आनी राजकारण्यांचे कोळसो हाताळणेक परवानगी दिवपाचे चुकीक लागून जाल्ली आसा.
f. बेकायदेशीरपण नदरेक हाडून दिवन लेगीत भौशीक सुनावणी चालू दवरपाक विरोध केलो.
g. प्रकल्प-प्रस्तावक, अधिकारी आनी सरकारी अधिकारी हांणी हातमेळवणी केल्या.
h. प्रकल्प प्रस्तावक आनी सरकारी आधिकाऱ्यां कडल्यान कसलीच जाप भौसाक मेळूंक ना.
i. कोळश्यांच्या ट्रकांक लागून सद्यार व्हड येरादारी-धोको निर्माण जाला.
j. केंद्र सराकाराचे वृत्तीक लागून, एक दीस गोंयकार भारता कडल्यान स्वातंत्र्य मागतले.
k. सरकार चोर आसा आनी मुरगांवच्या लोकांक न्याय मेळूंक ना.
l. 3 दीस सेगीत भौशीक सुनावणी घेतिल्ले खातीर विरोध परगटायलो.
m. मुरगांवच्या आमदारान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन हातमेळवणी केल्या.
n. प्रदुशीत कार्गो उपक्रमा कडेन सरकारान संबंद दवरूंक जायना.
o. प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक परवानगी मंजूर करून केंद्र सरकारान मुरगांवच्या लोकांक त्रास दिवपाक जायना.
p. कोळसो प्रदुशणाक लागून वीर्य-प्रमाणांत घट जाल्या.
q. बायणा आनी खारीवाड्या वयल्या लोकांक भायर काडिल्ले तेन्ना भौशीक सुनावणी कित्याक जावंक नाशिल्ली?

r. प्रकल्पाक मान्यताय दिली जाल्यार जावपी वाडीव कोळसो हाताळणेक लागून जी रस्त्या वयली ट्रकांची येरादारी वाडटली, ती वास्को आनी सडो हांगाच्या रस्त्यांक पेलचीना.
s. सरकारान वास्कोंतल्या लोकांचे प्रस्न समजुचे आनी लोकांक आंदोलन करूंक फोर्सार करचे न्हय.
t. अमोनिया टांकयांचो धोको सरकारान विचारांत घेवचो.
u. सगळ्या लोकांनी प्रकल्पाक विरोध केल्लो आसून लेगीत, प्रकल्पाक मान्यताय मेळटली, हाची आपणाक जाणविकाय आसा.
v. 3 प्रकल्पांक मान्याताय दिली जाल्यार सेगीत आंदोलन जातलें.
w. भौशीक सुनावणेक येवपी लोकांक सरकारान पैशे दिवचे.
x. प्रस्तावीत तिनूय प्रकल्प गुठलावचे, अदानी आनी जिंदालाक वास्कोंतल्यान भायर काडचे आनी एम.पी.टी.न नितळ कार्गो हाताळचो.
y. वास्कोंतल्या कोळसो समस्ये खातीर थळाव्या आमदाराक दोशी थारायलो.
z. सड्या वयल्या लोकांक दिसाक फकत 1 वर उदक दितात जाल्यार प्रकल्प प्रस्तावकाक 7 लाख लिटर उदक कित्याक, हाची जाप विचारली.

**43. <u>जयेश शेटगांवकार, सडो :</u>**

a. थळाव्या लोकांक वास्कोंत कोळसो हाताळणी नाका.
b. हे तरेच्या कंपन्यांनी गोंयकारांक रोजगार ना.
c. वास्कोकारांक कोळसो म्हणल्यार ल्हवू-ल्हवू जाल्ली वीख बाधा. हे वीख-बाधे खातीर आपूण पुलीस स्टेशनांत कागाळ करतलो.
d. प्रकल्प प्रस्तावकाचो पूर्व इतिहास तपासल्या उपरांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान भौशीक सुनावणेक वचपाक नाका आशिल्लें.
e. ही सुनावणी म्हणल्यार वेळ, पेशे आनी कश्टांचो अपव्यय आसा.
f. वास्कोंतलो कोयराचो प्रस्न हाताळूंक गों.रा.प्र.नि. मंडळाक येस आयिल्लें ना, जाल्यार तें कोळसो प्रदुशण कशें सोडोवंक पावतलें? असो प्रस्न विचारलो.

**44. <u>श्री. चंद्रशेखर वस्त :</u>**

वास्कोंत कोळसो हाताळणी प्रकल्प जावचो वा ना, हें थारावपा खातीर ओपिनिअन पोल घेवचो, ह्या अध्यक्षांच्या विधानाक तांणी विरोध केलो.

**45. <u>श्री. टेरेन्स जॉर्ज :</u>**

कोर्टाच्या निकाला प्रमाण एकाच दिसा तीन वेगवेगळ्यो सुनावण्यो घेवंक मेळनात, अशें स्पश्टीकरण दिले. एम.पी.टी. चो  प्रस्तावीत ड्रेजिंग उपक्रम वेगळो काडून पळोवपाक मेळना अशें एन.जी.टी.च्या निकाला वयल्यान दिश्टी पडटा.

**46. <u>जॅसिंतो सौज, खारीवाडा, वास्को :</u>**

a. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाक पुरायपणान विरोध केलो.

b. वास्कोंतल्या भुरग्यांचे भलायकेक एम.पी.टी. आनी कोळसो हाताळणी हांकां लागून धोको निर्माण जाला.
c. 1000 परंपरीक नुस्तेकारांचेर आनी नुस्तेमारीचेर परिणाम जाला.
d. वास्कोकार सगळें कोळसो प्रदुशण भोगतात.
e. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या कोळसो हाताळणेच्या विस्ताराक मान्यताय दिवपाक कांयच रजांव ना.
f. मंडळान केल्ले तपासणे विशीं स्पश्टीकरण मागलें आनी मंडळान कारवाय कित्याक करूंक ना? अशें विचारलें. मंडळाच्या अधिकाऱ्यान कंपनीचे प्रदुशण स्तर चड सांपडिल्ल्यान मंडळान कंपनीक उत्पादन 25% न उणें करपाचो आदेश दिल्ल्याचें सांगलें.
g. प्र.प्र.क 5 द.ल. टनाचें उत्पादन 25% न उणे करपाचो आदेश दिल्लो आसतना विस्तारा खातीर भौशीक सुनावणी घेवपा फाटलें तर्कशास्त्र कसलें? असो प्रस्न केलो.
h. एम.पी.टी.न आपले बर्थ थळाव्या लोकांक आनी न्हय भायल्या लोकांक भाडेपट्टेचेर दिवंक जाय.
i. कोळसो म्हणल्यार एम.पी.टी.न आनी सरकारान वास्कोकारांक दिल्ले दुयेंस. ह्या प्रकल्पाक लागून कितल्या गोंयकारांक शिर्विसो मेळटल्यो?
j. गोंयकारांक जर तांतूतल्यान रोजगाराचे लाब ना जाल्यार, जे.एस.डब्ल्यू. च्या कोळसो हाताळणेक लागून वास्कोकारांचो छळ कित्याक जावंक दिवपाक जाय?
k. दर्या उदकाच्या प्रदुशणा विशीं मंडळान केल्ले कारवायेचे तपशील मागले.
l. कोळश्याक लागून नुस्त्याचें लेगीत संदुशण जालां आनी बारीक धुल्लाचेर नियंत्रण दवरपाक जायना.
m. कोळसो हाताळणेंतले ट्रक येरादारीक लागून वास्कोच्या रस्त्यांचेर येरादारीची कोंडी जाल्या. आपलो इश्ट अक्षय तारी हाका कोळसो व्हरपी ट्रकान धपको दिल्ल्यान जीव वगडावचो पडलो.
n. प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवंक तांणी खर विरोध परगटायलो.

**47. <u>सावियो कुरैय, मांगोर हील, वास्को :</u>**

a. आपणाक कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करपाचो आसा. काल रातीं 11:30 वरांचेर कालची भौशीक सुनावणी आयज 10:30 वरांचेर चालू दवरपाचो निर्णय जाल्लो. पूण आयज चॅनलाचें खोलायकरण/ड्रेजिंग ह्या दुसऱ्या प्रकल्पा खातीर भौशीक सुनावणी सुचोवणे वरवीं निश्चीत जाल्या.
b. देखून गों.रा.प्र.नि.मं.न आयजची सुनावणी स्थगीत करपी वा फुडें धुकलपी नोटीस काडूंक जाय.
c. एम.पी.टी.चे आयजचे सुनावणेचेर भो. सर्वोच्च न्यायालयाची नदर आसा.
d. आयजची एम.पी.टी. प्रकल्पा विशींची सुनावणी भोवच महत्वाची आसा.
e. आयजची सुनावणेची वेळ वा तारीख स्थगीत केल्ली/फुडें धुकल्ली जाल्यार ते तरेची नोटीस काडप गरजेचें.

f. श्री. कुरैय हांणी उपस्थीत केल्ल्या कायदेशीर मुद्द्याक लागून कालची सुनावणी शनवार 29/04/2017 दिसा सकाळीं 10:30 वरांचेर फुडें चालू उरतली अशें जिल्ल्याधिकाऱ्यान सांगलें. कालची सुनावणी शनवार 29/04/2017 दिसा फुडें धुकलपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाक श्री. कुरैय हांणी विरोध परगटायलो.

**48. <u>श्री. सुरेश बर्वे :</u>**

a. काल रातीं कालची सुनावणी आयज घेवपाचो निर्णय जाल्ल्या कारणान अध्यक्षाक ती शनवारा मेरेन स्थगीत करपाक मेळना. ताचेर अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यान सांगलें, काल थारिल्ली सुनावणी आयज चालू दवरपाचो निर्णय सर्वमतान आशिल्लो, पूण जर लोकांक ती चालू दवरिल्ली नाका जाल्यार आपणाक कांयच हरकत ना.

**49. <u>श्री. सावियो कुरैय, मांगोर हील, वास्को :</u>**

a. कालची सुनावणी फुडें धुकल्ली अशें हांवें म्हणूंक ना, जाल्यार काल राती थारिल्ले भशेन ती आयज चालू दवरची अशें म्हणलां, अशें विधान परतें येवन केलें. त्याभायर कालचे भौशीक सुनावणेचें इतिवृत्त वाचून ताका मान्यताय घेवंक जाय आनी ती 4 दिसा उपरांत घेवपाक मेळना.

b. एम.पी.टी. प्रकल्पा खातीर आयज थारिल्ली भौशीक सुनावणी आपूण एका वरा खातीर फुडें धुकलतां. आतां आपूण काल उतर दिल्ले प्रमाण कालची सुनावणी चालू दवरतां आनी ती जातकीच उपरांत आयज अधिसूचीत जाल्ली सुनावणी चालू जातली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

**50. <u>ॲड. आयरीश रॉड्रिगीश :</u>**

a. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रतिनिधींनी आपली वळख करून दिवपाची विनवणी केली. प्रतिनिधींनी आपली वळख अशे तरेन करून दिली:

श्री. आर. आर. पात्रा, उपाध्यक्ष, जे.एस.डब्ल्यू. इन्फ्रास्ट्रक्चर.

श्री. ॲन्थनी फर्नांडीस, युनिट मुखेली, एस.डब्ल्यू.पी.एल.

b. ही सुनावणी भोवच असंघटीत पद्दतीन घेतल्या.

c. भौशीक सुनावणी जावपी तिनूय प्रकल्पां विशीं आपूण सामान्यपणान उलयतलों.

d. ह्या प्रकल्पाचो एम.पी.टी. वांटो आसा व्हय? अध्यक्षां कडल्यान स्पश्टीकरण मागलें.

e. प्र.प्र. जे.एस.डब्ल्यू./एस.डब्ल्यू.पी.एल. आशिल्ल्यान एम.पी.टी. ह्या प्रकल्पाचो वांटो ना अशें अध्यक्षांनी सांगलें. ताचेर एम.पी.टी. ह्य प्रकल्पाचो नक्कीच वांटो आसा अशें तांणी सांगलें.

f. ही भौशीक सुनावणी एस.डब्ल्यू.पी.ची आसा, जे.एस.डब्ल्यू.ची न्हय. देखून एस.डब्ल्यू.पी.चे वतीन जे.एस.डब्ल्यू.चो प्रतिनिधी अधिकृती पत्र नासतना, खंयच्या आदाराचेर हाजीर आसा? असो प्रस्न विचारलो.

g. अध्यक्षांनी जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रतिनिधीक भौशीक सुनावणी सोडपाचो आदेश दिवचो अशी मागणी तांणी केली. त्या वेळार जे.एस.डब्ल्यू.ची उपशाखा एस.डब्ल्यू.पी.एल. आसून लेगीत, जे.एस.डब्ल्यू.चो प्रतिनिधी आपूण जावन सकयल दवलो.

h. गोंयकारांचो एम.पी.टी. वयलो विस्वास उडिल्ल्यान कालचे आनी आयचे सुनावणेक व्हडा संख्येन लोक आयला.

i. आपल्या स्कुलांत के 7 वर्सांचे चलयेचेर बलात्काराचे घडणुकेचेर एम.पी.टी.न कांयच कारवाय करूंक ना.

j. सद्याच्या राज्य सरकारान आमी स. माथानी सालदाना हांची परंपरा फुडें चलयतले, अशें उतर दिल्लें पूण तांणी उतराक पाळो दिवंक ना.

k. गोंय एक ल्हान राज्य आसा आनी नियोजना बगरच्या विकासाक लागून पर्यावरण आनी समाजीक स्थितीचें व्हडा प्रमाणाचेर नुकसान जायत आसा.

l. राज्य सरकार गोंयाक काबार करपाक उठलां. गोंयकार नितळ हवा घेतात अशें दाखोवपाक ब्रिक्स परिशदे वेळार कोळसो येरादारी बंद दवरिल्ली.

m. ब्रिक्स परिशदे वेळार कोळसो हाताळणी बंद कित्याक दवरिल्ली, असो प्रस्न एम.पी.टी.क विचारलो. नितळ हवा घेवपाचो हक्क फकत गरीब आनी शक्तीमान लोकांकच? असो प्रस्न केलो.

n. हया नियोजनशून्य दूरदृश्टी नाशिल्ल्या विकासाक लागून गोंय काबार जातलें. एम.पी.टी.न गोंयचो विचार करचो, अशी विनवणी केली. अध्यक्षांनी लेगीत गोंयकारांक गृहीत धरचे न्हय, आपल्या पर्यावरणाचें नुकसान हाचे मुखार गोंयकार सोंसचे ना. अध्यक्ष नाशिल्ल्या गों.रा.प्र.नि. मंडळान अपक्षपाती आनी राजकारण्यांच्या इशाऱ्याचेर नाचनासतना वावरूंक जाय.

**51. <u>एस. ए. कामत, चिखली :</u>**

a. कोलसो प्रदुशणाक लागून आपल्या घराचे जमनीर कोळश्याचो थर सांचला. एस.डब्ल्यू.पी.न 5 आनी 6 ए बर्थांचेर कोळसो हाताळणेंत विस्तार करपाचो थेट संबंद एम.पी.टी.न चॅनलाचें खोलायकरण करपा कडेन आसा. बर्थ 5 ए आनी 6 ए चेर जावपी प्रदुशण नियंत्रण दवरूं ना जाल्यार चॅनलाचें खोलायकरण म्हणल्यार पैशांची वाट लायिल्ले भशेन थारतलें. सद्या कंपनी म्होडटा त्या टना फाटल्यान रु.1/- च्या वांट्याक कंपनीक रु.8/- ते रु.10/- टना फाटल्यान कोळसो प्रदुशण आडावपा खातीर लागतले. गों.रा.प्र.नि. मंडळ आनी कोळसो कंपन्यांनी हातमेळवणी केल्या.

b. कंपनीन सी.एस.आर.चेर पैशे म्होडप बंद करचें आनी प्रदुशण नियंत्रणा खातीर पैश खर्च करून आमकां नितळ हवा घेवंक दिवचें.

**52. <u>कॅनडी आफोंसो, निमंत्रक, गोअन्स फॉर गोवा, केळशी :</u>**

a. गोंयाक कोळश्याची गरज आसा? गोंयकारांक रांदूंक वा गोंयच्या उद्देगाक कोळश्याची गरज आसा व्हय? ह्या प्रस्नाची जाप 'ना' अशी आशिल्ल्यान, बिगर गोंयकार कंपन्यांक फायदो करून दिवपाक गोंयचे मातयेचो वापर कित्याक करूंक दितात आनी दिवपाक जाय?

b. मोपा विमानतळाची सुनावणी घेवपाच्या विशयांत गों.रा.प्र.नि. मंडळाक अपेस आयिल्ल्यान ते हो प.प्र.त. हाताळूंक शकचें ना.

c. अदानी आनी जिंदाल हांचीं बोल्सां भारपाक गोंयांत कोळसो हाडटात आनी परिणाम म्हणल्यार गोंयकार गोंयकारांक धुल्ल प्रदुशणाक लागून त्रास जाता.
d. गोंयाक कोळश्याची गारज ना जाल्यार सद्याचे भौशीक सुनावणेची प्रक्रिया रद्द करपाक जाय.
e. सद्याक एम.पी.टी. म्हणल्यार मनी पोर्ट ट्रस्ट जाल्या, एम.पी.टी.ची कोळश्याची रास धांपण्या बगर आसा.
f. कोळश्याचेर फवारणी करपाक चड उदक वापरतले ह्या एम.पी.टी.च्या विधानाक विरोध केलो. कोळसो हाताळणी आनी प्रदुशणाक लागून कॅन्सर दुयेंस जालां आनी तें दुयेंस वाडत आसा.
g. बर्थ 5ए आनी 6ए चेर वाडीव कोळसो हाताळणी जाल्ल्यान पुराय गोंय राज्यांत प्रदुशण जातलें.
h. 2012 वर्सा जेन्ना फकत 5 द.ल.ट. उत्पादन आशिल्लें तेन्ना हायकोर्टान बर्थ क्र. 10 आनी 11 बंद ल्करपाचो आदेश दिल्लो. आतां सुमारा भायर उत्पादन आशिल्ल्यान प्रदुशण नियंत्रणा भायर वतलें.
i. गोंयांतल्या गांवांतल्यान कोळसो कर्नाटकांत व्हरतात. सगळो कोळसो कर्नाटकांतल्या कंपन्यां खातीर आशिल्ल्यान त्या त्या कंपन्यांनी कर्नाटकांत बंदरां स्थापन करप गरजेचें.
j. एम.पी.टी.चें ड्रेजिंग फकत देखभाली खातीर - हें केंद्रीय मंत्री श्री. नितीन गडकरी हांचें विधान फटीचें आसा.
k. मोपा आंदोलना वेळार गोंयकारांक फटयल्ले पूण आतां मात ते फटोवन घेवचे नात.

53. **<u>श्री. एडवीन मास्कारेन्हस, चिखली :</u>**

a. माचयेर बशिल्ल्या लोकांनी आपापली वळख घडोवची, पदां सांगची. तांणी चर्चेंत कांयच वांटो घेवंक ना आनी भौसाच्या प्रस्नांक जापो दिवंक नात.
b. हाचे आदल्या उलोवप्यान हाचे आदींच ती मागणी केल्ली आनी ती पुराय जाल्या. परतून परतून वळख घडयत रावल्यार ही सुनावणी केन्नाच सोंपची ना, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.
c. प.प्र.च्या प्रतिनिधीन भौशीक सुनावणेंत वांटो घेवंक जाय आनी लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवंक जाय प्र.प्र.चे वतीन अध्यक्ष वा मंडळान जापो दिवंक जायनात.
d. 5ए आनी 6ए बर्थांच्या विकासाच्या मुळाधार अभ्यासांत गरज आशिल्ल्या उदकाचो तपशील दिवंक नात आनी फॉर्म-I भितर प्रदुशण आळाबंदा हाडपाक आनी नियंत्रीत करपाक 7 लाख लीटर उदक लागतलें अशें म्हणलां.
e. लोडिंग/अनलोडिंगाचे प्रक्रियेंतले पांवडे सांगून कोळश्याचे गळटेक लागून धुल्ल तशेंच घनकण हवेंत पातळिल्ल्यान जावपी हवा प्रदुशणा विशीं सांगलें. देखीक बंदरांत एक दशलक्ष टन कोळसो येता, तांतूतलो 1% कोळसो हाताळणेंत गळटा, जाचें प्रमाण 10,000 द.ट. जाता, जातूंत मुरगांव तें बळ्ळारी जिल्ल्यांतल्या तोरंगळ्ळ मेरेनच्या रेल्वे येरादारी मजगतीं गळटी जाल्ल्या कोळशाचोय आसपाव जाता, तशेंच जहाजांत दसून उरिल्लो कोळसो-जो दर्यांत व्हांवन वता आनी प्रचंड प्रदुशण करता, ताचोय आसपाव जाता. हे विशीं कसलोच मुळाधार अभ्यास करूंक ना, जो प.प्र.त. अहवालांत आसपावप गरजेचें आशिल्लें.

**54. श्री. दिनेश डायस :**

i. तांणें प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावीत प.प्र.त. अहवालाचो फॉर्म-I आनी चॅनल खोलायकरणाच्या एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I मदीं तुळा केली.

   a. पर्यावरणी संवेदनशीलताये विशींच्या भाग III कडेन तांणें प्र.प्र.चे लक्ष ओडलें. तांतूत प्रस्तावीत प्रकल्पाचे शिमे पसूनच्या 15 कि.मी. हवाई अंतराचो उल्लेख केला. तांतूत अनु.क्र.7 चेर प्रकल्पा लागी संरक्षण आस्थापनां नात, अशें म्हणला, तशेंच विमानतळ ना म्हणलां, जी एस.डब्ल्यू.पी.न मारिल्ली एक फटास आसा.

   b. अनु.क्र.8 चेर प्रकल्पाच्या 15 कि.मी. त्रिज्या क्षेत्रांत दाटायेन लोकसंख्येचो वाठार ना अशें म्हणलां जाल्यार एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I भितर कांय वाठारांचो उल्लेख केला.

   c. 5ए आनी 6ए च्या फॉर्म-I भितर, अनु.क्र.9 चेर 15 कि.मी. अंतरा भोंवतणी शाळा वा धर्मीक इमारती ना, अशें म्हणला. पूण एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I भितर कांय शाळा, हॉस्पिटलां आनी धर्मीक बांदकामां आसात अशें म्हणलां. हाचो अर्थ प्र.प्र.चो फॉर्म-I चुकीचो आसा, त्या भायर तांतूत ओल्ड गोवा चर्च हे जागतीक वारसो वास्तुंचोय उल्लेख ना.

   d. कृशी, नुस्तेमारी, पर्यटन दीर्ची संसाधनां आशिल्ले कसलेच वाछार ना अशें प्र.प्र.च्या फॉर्म-I भितर अनु.क्र. 10 भितर म्हणलां रूण एम.पी.टी. च्या फॉर्म-I भितर कांय पर्यटन थळां आसात. पूण अजापाची गजाल म्हणल्यार तांतूत चिखली खाडी आनी ग्रांड आयलॅंड, जंय अनुसूचीत प्रजाती सांपडल्यात तांचो उल्लेख ना.

   e. प्र.प्र. न भेटयल्ल्या फॉर्म-I च्या अनु.क्र. 11 भितर प्रकल्प थळाच्या 15 कि.मी. वाठारा भोंवतणी प्रदुशीत जावं येतात अशीं थळां ना, अशें म्हणला, जें चुकीचें विधान आसा. हाचें कारण बंदर आनी भोंवतणेचे वाठार फाटलीं कितलीशींच वर्सां प्रदुशणाचे अधीन आसात.

   f. प्र.प्र.न फॉर्म-I भितर दिल्ली माहिती फटीची आसा आनी तांणें दिल्ले स्विकृती पत्रा प्रमाण, मान्यताय/मंजुरी न्हयकारपाक जाय.

   g. राज्य सरकारान लादिल्लो ग्रीन सेस जे.एस.डब्ल्यू. आनी अदानीन कित्याक भरूंक ना? असो प्रस्न केलो. ताचेर मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी हो प्रस्न न्यायालयांत आसा अशें सांगलें.

   h. प.प्र.त. अहवालांत कोळसो येरादारी करपी कार्गो धांपून व्हरतले अशें सांगलां. पूण रेल्वेच्या दुपेटीकरण प्रकल्पाचे तपासणे वेळार, कांसावली हांगा थळाव्या आमदाराक आनी रेल्वे आधिकाऱ्यांक धांपपाची रीत फावोशी नाशिल्ल्याचें लक्षांत आयलें. रेल्वेन हाचो दोश एम.पी.टी. आनी एस.डब्ल्यू.पी.क दिलो.

   i. बंदरांत केपसायज जहाजां आयलीं जाल्यारूच बर्थ 5ए आनी 6ए चो विस्तार शक्य आसा. हे खातीर चॅनलाचें रुंदीकरण गरजेचें आसा. पूण फॉर्म-I भितर प्र.प्र.न चॅनल खोल वा रूंद करचे ना, अशें म्हणलां.

j. 5ए आनी 6ए च्या विस्ताराचो एम.पी.टी.च्या चॅनल रुंदाय करणा कडेन संबंद आसा वा ना? अशें स्पश्टीकरण तांणी प्र.प्र. कडेन मागलें.

k. प्र.प्र.न जाप दितना, हे प्रकल्प एकामेकांक जोडिल्ले ना आनी तांकां गरजेच्यो परवानग्यो मेळत जाल्यार, प्रवेश चॅनल खोल केले बगर लेगीत ते बर्थ 5ए आनी 6ए च्या विस्ताराक फुडें वतले अशें सांगलें.

l. एम.पी.टी. च्या अहवालांत चिखली खाडीचे आनी ग्रांद आयलँडाचे परिस्थितिकी संवेदनशिलताये विशीं स्पश्टपणान उल्लेख आसा, जंय अनुसुचीत प्रजाती मेळटात. पूण प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या अहवालांत मात ना. अजापाचें म्हणल्यार दोगांयचो सल्लागार एकूच जावन आसा. एम.पी.टी.च्या अहवालांत आंतर-भरती प्रस्तर अधिक्षेत्रांचो - काब-द-राम, शिरदोन, दोनापावल खातीरचो उल्लेख आसा, पूण प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या अहवालांत मात ना.

m. भौशीक माळा वयलें आस्थापन आशिल्ल्या वॅप्कोसान, सरकारा खातीरच्या प.प्र.त. अहवालांतली माहिती आनी प्रस्तूत प्रकल्पा (5ए आनी 6ए) खातीरच्या अहवालांतली माहिती हांचे भितर कशी तफावत आसा, हाचें स्पश्टीकरण दिवंक जाय.

**55. <u>रुपेश शिंक्रे :</u>**

कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलोः

a. एम.पी.टी.न चॅनलाचें रुंदीकरण केलें जाल्यारूय व्हड जहाजांक प्रवेश दिवप शक्य जातलें, अशें प्र.प्र.न प.प्र.त. अहवालाच्या अनु.क्र. 22 चेर म्हणलां, अशें सांगलें. हाचे वयल्यान, प्रस्तूत प्रकल्पाचो एम.पी.टी.च्या चॅनल खोलायकरण आनी रुंदीकरणा कडेन कांयच संबंद ना हे विधान धादांत फट आशिल्ल्याचें सिद्ध जाता. प्रकल्प प्रस्तावकान प.प्र.त. भितर आपणें जें कितें सांगलां तेंच खरें आसा - म्हणल्यार तांच्या 5ए आनी 6ए विस्ताराचो चॅनल रुंदायकरण वा खोलायकरणा कडेन कांयच संबंद नाशिल्ल्याची जाप दिली.

**56. <u>सुदीप दळवी, म्हापशें :</u>**

a. अध्यक्ष आनी पॅनलान हाचे आदींच ह्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाचें थारायलां.
b. गोंयकार ऑफिसरांनी कंपनीक तेंको दिवंक फावना.
c. कोळसो हाताळणी आनी येरादारी वाडली जाल्यार वास्कोकारांची जीण काबार जातली.
d. फुडल्यो पिळग्यो कर्करोगाच्या दुयेंसांनी आनी हवा प्रदुशणाक लागून जावपी दुयेंसांनी त्रासांत पडटल्यो.
e. फुडारांतल्या पर्यावरणी प्रस्नां खातीर सरकारी अधिकारी जापसाल थारतले.
f. गोंयकार अधिकाऱ्यांच्या ह्या विचित्र वृत्तीक लागून जावपी गोंयचो वाडटो नाश थारावपाक पुराय गोंयभर आंदोलन जातलें.

**57. <u>सुरेश बर्वे :</u>**

श्री. बर्वे हे हाचे आदींच (काल) उलयल्यात देखून तांकां परतून उलोवपाक मेळचें ना, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

**58. <u>लुमिया आल्मेदा, सुरावली :</u>**

a. कोळसो वाहतूक करपी येरादारीक लागून सुरावली गांवांतल्या लोकांक स्वसनाचीं दुयेसां जाल्यांत. जायत्या थळाव्या लोकांक अस्थमा जाल्ल्यान उपचार करचे पडटात.

b. कोळसो हाताळणी आनी येरादारींत वाड जाल्ले कारणान गांवचीं गांवां नश्ट जातलीं.

c. राज्य सरकार गोंयाक काबार करूंक उठलां.

**59. <u>संकल्प आणोणकार, बायणा, वास्को :</u>**

a. आपूण प्रकल्पाचो निशेध करून आपलें मत मांडटां.

b. कालच्यान ही भौशीक सुनावणी चालू आसा आनी सुनावणेचें पूर्वनियोजीत नाटक केल्ले भशेन दिसता.

c. प्र.प्र.त. चें सादरीकरण केलां तांतूत फकत आत्मस्तुतीच दिश्टी पडटा.

d. काल एके व्यक्तीन एम.पी.टी. आपल्यो कोळश्यांच्यो राशी उक्त्योच दवरता अशें सांगलां, ताचे वेल्यान हें सादरीकरण फट आसा, हें सिद्ध जाता.

e. वास्कोंत उदकाचो खर उणाव आसा आनी प्र.प्र. मात फकत धुल्ल दमना खातीर 7 लाख लीटर उदक वापरता. ताका लागून उदका खातीर वळवळे काडपी लोकांक पिवपाचें उदक लेगीत मेळना. देखून तें बंद करूंक जाय. गोंयांत हाडिल्लो कोळसो कर्नाटकांत धाडटात, देखून गोंयाक ताचो कांयच उपेग ना.

f. कर्नाटकान आपली स्वताची साधनसुविधा विकसीत करपाक जाय.

g. आपली चली धरून हेर कांय भुरग्यांक कोळसो प्रदुशणाक लागून स्वसनाचें दुयेंस जालां.

h. वास्कोकारांक गोंयांत कोळसो हाताळणी नाका.

i. प्र.प्र.न केल्ली स.स.ला. (सी.एस.आर) कांयच उपेगाची ना.

j. प्र.प्र. कडल्यान वास्कोकारांनी सी.एस.आर.ची मागणी करूंक ना. सी.एस.आर. खाला कंपनीन ‘हर्स व्हॅन’ दिल्या, हाचो अर्थच  प्रदुशण पोटांत गेल्ल्यान लोक मरतले, देखून त्यो दिल्यात असो जाता.

k. प्र.प्र.न ही भौशीक सुनावणी मुखार व्हरूंक जायना. प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक तशेंच गोंयांतले कोळसो हाताळणेक आपूण पुराय रितीन विरोध करतां.

**60. <u>डॉ. जोर्सन फर्नांडीस, लोटली :</u>**

a. कोळश्याच्या धुल्लांक खंयचीच सुरक्षीतताय ना. कोळश्याच्या धुल्लांत पारो, भीड, निकेल, क्रोमियम, रेडिओ आयजोटोप्स आनी हेर जड तशेंच विखारी धातू सांपडटात जे धुल्ला वांगडा पातळटात.

b. बंदरांत येवच्या पयलीं कोळसो कार्गोची तपासणी कोण करता? जर पॅसेजरांची बॅग विमानतळाचेर तपासतात जाल्यार बंदराचेर येवच्या पयलीं कोळश्याचीं लेगीत तपासणी जावंक जाय.

c. बारीक कोळसो-धुल्लाक लागून भलायकेचे साबार प्रस्न निर्माण जातात. बारीक धुल्लांत श्वसनीय धुल्ल अशेंय म्हणटात. ताका लागून गंभीर स्वसनाचे आजार जातात.

d. हो कोळसो सोंसप भोवच धोकोदायक आसता.
e. वास्कोच्या हवेंतल्या कोळश्याचे घनकण तपासूंक गों.रा.प्र.नि. मंडळ सज्ज आसा?
f. मंडळ ह्या विशयाचेर स्रोत अभ्यास करतलें, अशें मंडळाच्या अदिकाऱ्यांनी सांगलें.
g. ह्या पांवड्यार मंडळा कडेन हवेंतल्या कोळसो-धुल्लाचें प्रमाण निश्चींत करपाक मंडळ असमर्थ आसा हें धक्कोदायक आसा.
h. घातक कोयर प्रदुशणाक लागून कुंकळ्ळी हांगा जाल्लें प्रदुशण नियत्रीत करपाक मंडळाक अपेस आयलां. तशेंच तरेन वास्को शारांतलें कोळसो प्रदुशण आडावप मंडळाक जावचें ना.
i. कोळश्याच्या बारीक धुल्लाची तपासणी सेगीत करपाक जाय आनी तपासणेचे तपशील जाहीर करपाक जाय.
j. कोळसो धुल्ल तपासणे खातीर एक यंत्रणा नियुक्त/स्थापन करपाक जाय. पूर्वनिश्चीत हॉस्पिटलांनी प्राधिकरिणी नियुक्त करून कोळश्या कडेन संबंदीत दुयेंसांचेर उपचार करपाक जाय.
k. गोंयांत मनविमनस्कतायेच्यो (ऑटिस्टिक) केशी वाडत आसात, तांचो सोद घेवपाक जाय.
l. कोळसो प्रदुशणाक लागून जाल्ल्या पिवपाच्या उदकाच्या प्रदुशणाचो अभ्यास गों.रा.प्र.नि.मं.न करूंक जाय.
m. कोळसो धुल्लाक लागून हवेंत पाऱ्याचो स्राव जाता. भिडाचे 114 पावंड आनी कॅडमियमाचे 4 पावंड जर मातवी पेशींत गेले जाल्यार मज्जा संस्थेचेर परिणाम जावं येता.
n. कोळसो प्रदुशणाक लागून मज्जासंस्था, कार्डिओ व्हॅस्क्युलर तशेंच श्वसन-यंत्रणेक बादा येता.
o. कोळसो प्रदुशणाक लागून काळजाच्या आताकांची संख्या वाडत आसा.
p. हवा नियमांत सुदारणा करपाची गरज आसा.
q. हवा आनी उदक अधिनियमात बदल करून मंडळान कोळसो धुल्ल प्रदुशण नियंत्रणांत हाडूंक जाय.
r. कोळसो प्रदुशण गुरवार बायलेन सोंसलें जाल्यार नव्यान जल्मल्ल्या भुरग्या भितर दोश निर्माण जाता.
s. कोळसो प्रदुशणाक लागून माती आनी उदक प्रदुशण जाता.
t. कोळसो प्रदुशणाक लागून उद्देगीक ब्रॅांकिटीस निर्माण जाता.
u. धुल्ल सोंसणे काळ आनी कोळश्याचो वापर उणो करप अशें धोरण प्र.प्र.न. राबोवंक जाय वा कोळसो हाताळणी थारावपाक जाय.
v. विश्लेशण हें अग्रगामी आसता.
w. ‘पेस्टेली’ (राजकी, अर्थीक, समाजीक, तकनिकी, पर्यावरणी विधी आनी उद्देगीक धोरण)
x. अशें पेस्टेली विश्लेशण वा अभ्यास कोळश्याचे येरादारी वेळार जावपी धुल्ल स्रावां खातीर करूंक ना.
y. दरेके वेगनींतल्यान सुमार 300 कील कोळसो गळटा, जाल्यार मुखा वयले येरादारीक लागून जावपी गळटी बेसुमार जातली.

z. कोळश्यांत जड धातू आसता आनी ताच्या प्रभावाची तपासणी जायना.

aa. ह्या गजालींच्या अभावान, कोळसो हाताळणेक मंजुरी दिवंक जायना.

bb. गोंय सरकाराचें कसलेंय उद्देगीक धोरण आसा ? असो प्रस्न केलो. उद्देगीक धोरण तयार करतना भौशीक सहभाग आसप गरजेचें.

61. **<u>श्री. अभिजीत प्रभुदेसाय</u>**

a. हे भौशीक सुनावणेचें संकलन जावंक जाय आनी इतिवृत्ताक मान्यताय दिवंक जाय. भौसान विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो प्र.प्र.न भेटोवंक जाय. ताचेर अध्यक्षांनी ही सुनावणी आजून पुराय जावपाची आसा इतिवृत्त वाचपाचें आसा अशें सांगलें.

62. **<u>श्री. ओलेंन्सियो सिमोयश</u>**

a. सुनावणेंत उलोवपा खातीर नांव बरोवपाचे रितीक तांणी विरोध केलो.

b. तांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो

63. **<u>श्री. पुरूषोत्तम शेट्ये, वास्को</u>**

a. कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करून, भौशीक सुनावणेंत उलोवपाच्या लोकांच्या स्वातंत्र्याचेर अध्यक्ष मर्यादा घालपाक शकना, असो मुद्दो उपस्थीत केलो.

b. प.प्र.त. अधिसुचोवणेंत नांवां बरोवपाची प्रक्रिया ना.

c. अध्यक्षांच्या वर्तना विशीं खर विरोध केलो आनी प.प्र.त. अधिसुचोवणेचें उल्लंघन जालां, अशें सांगलें. सद्याचो प्रस्ताव भायर मारापक जाय. आपणें उपस्थीत केल्ल्या हरकतीचें दृश्यचित्रण जावंक ना.

हे सुनावणेचो शेवट जावपाचे नदरेन उलोवप्यांनी आपलीं नांवां नोंद करप गरजेचें, जाका लागून तांकां 29/04/2017 दिसा उलोवपाक मेळटलें. ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेन स्थगीत केल्या अशें तांणी सांगलें.

d. श्री. शेट्ये हांणी ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेन फुडें धुकलपाच्या अध्यक्षांच्या निर्णयाक आव्हान दिलें. तशे तरेन सुनावणी फुडें धुकलपाक कायद्यांत तरतूद ना. अध्यक्षांची ही कृती म्हणल्यार भौसाचो अपमान. भौशीक सुनावणेक उलोवपाच्या लोकांच्या हक्काची राखण जावपाक जाय.

e. प्र.प्र.वा मंडळ हांचे कडल्यान कसलीच चूक जाली जाल्यार भौशीक सुनावणी फुडें धुकलूं येता. तांणी हे विशीं सविधानीक मुद्दो उपस्थीत केलो.

f. आयजचे भौशीक सुनावणेक उलोवपाचो लोकांचो हक्क लोकांचो न्हयकारला.

g. अध्यक्षांनी ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेन फुडें धुकलपाच्या निर्णयाक लागून प.प्र.त. अधिसुचोवणेचें उल्लंघन जालां. अध्यक्षांनी आपणाक जबरदस्तेन माचये वयल्यान सकयल देंवोवन उलोवपाच्या हक्का पसून वंचीत केला. आपल्या फुडल्या प्रस्नांक लेगीत जाप मेळूंक नाः 1) जे उलोवंक सोदतात तांकां नांवां कित्याक दिवची पडटात? 2) ही सुनावणी 29/04/2017 दिसा खंयचे तरतुदी प्रमाण फुडें घुल्ली?

**आजून मेरेन उलोवंक ना अश्या व्यक्तींक वळेरे प्रमाण अध्यक्षांनी तांचीं नांवां घेवन आफयले.**

64. अध्यक्षांनी संदीप दळवी हांकां उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

65. अध्यक्षांनी लुमिना आल्मेदा हांकां उलोवपाक आफयले, पूण त्यो हाजीर नाशिल्ले.

66. अध्यक्षांनी संकल्प आमोणकार हांकां उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

67. अध्यक्षांनी एडवीन मास्कारन्हेस हांकां उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

68. अध्यक्षांनी दिनेश डायस हांकां उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

**सुनावणेंतल्या लोकांनी साबार स्पश्टीकरणां मागलीं -**

a. प्र.प्र.न पयल्या दिसा दिल्ली माहिती अर्दकुटी आनी अपर्याप्त आशिल्ली.
b. उपरांत भौशीक सुनावणेंत आयज एम.पी.टी.न अतिरिक्त माहिती दिली.
c. दुसरे खंयचेय व्यक्तीक उलोवपाक दिवपाची परवानगी दिवपाची विनवणी ताणें अध्यक्षाक केली.
d. अध्यक्षांनी ताका परवानगी दिली.

69. <u>जुजे फिलिप डि'सोजा</u>

a. तांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो. हे भौशीक सुनावणेक विरोध करपी सगळे लोक भायले ह्या एम.पी.टी. च्या अध्यक्षांच्या विधानाचो तांणी निशेध केलो. ह्या विधानाक लागून गोंयकारांचो अपमान जाला देखून तीं उतरां फांटी घेवपाक जाय आनी तांणी गोंयकारांची माफी मागूंक जाय.
b. एम.पी.टी. चे अध्यक्ष गोंयकारां मदीं फूट घालूंक सोदतात. सुनावणेच्या अध्यक्षांनी एम.पी.टी. च्या प्रतिनिधींक लोकांच्यो भावना एम.पी.टी. च्या अध्यक्षां मेरेन पावोवपाची सुचोवणी केली.

**70. <u>सावियो कुरैय, मांगोर हिल, वास्को.</u>**

a. कालचे भौशीक सुनावणेक जिल्ल्याधिकारी, दक्षिण गोंय हाजीर नाशिल्ले, अशें तांणी सांगले.
b. एम.पी.टी. अध्यक्षांच्या विधानाक तांणी विरोध केलो.
c. प्र. प्र. आनी लोक हांचे मदलो संवाद म्हणल्यार भौशीक सुनावणी.
d. एम.पी.टी. न जर विधान फाटीं घेतलें ना जाल्यार पुराय भौशीक सुनावणी फुकट वता आनी तिका कांयच अर्थ उरना.
e. भौशीक सुनावणी चालू आसतना, अध्यक्षांनी प्रसिद्धी पत्रक काडलां, ताचे वेल्यान हे भौशीक सुनावणेच्या प्रक्रियेचें उल्लंघन जालां.
f. वास्को भायल्या लोकांक हे सुनावणेंत उलोवपाक परवानगी दिल्ले खातीर सभेच्या अध्यक्षांक एम.पी.टी. चो अध्यक्ष विरोध करता.
g. एम.पी.टी. न. त्या विधाना खातीर लोकांची माफी मागची. एम.पी.टी. अदानी आनी जिंदाल हांच्या इशाऱ्यांचेर नाचता, अशें तांणी सांगलें.
h. एक जबाबदार गोंयकार ह्या नात्यान, प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उपक्रमांक लागून निर्माण जाल्ले कोळश्याचे सुक्षीम घनकण लोकांच्या फुफ्फुसांनी वतात आनी ताका लागून भलायकेचे प्रस्न उप्रासतात, अशें तांणी सांगलें.

i. विस्तारा खातीर 'विकास' अशें कारण एम.पी.टी. दिता. पूण लोकांचें पोट भरपाचें साधन आनी जिवीत धोक्यांत घालून विकास जावपाक शकना.

j. कोळसो प्रदुशणाक लागून दर्यांतलें मर्क्युरीचें प्रमाण वाडटा. ताका लागून नुस्तें संदुशीत जाता, जें लोक खातात.

k. प्रकल्प प्रस्तावकाक लागून प्रदुशण जाता हें गों.रा.प्र.नि. मंडळान मानून घेतलां आनी हाताळणी 25% नी उणी करपाचो आदेश दिला.

l. गों.रा.प्र.नि. मंडळान कितले फावट प्रकल्प प्रस्तावकाक प्रदुशण उणें करपाक सांगलां आनी ताणें मंडळाचे आदेश मानून घेतल्यात?

m. ताचेर मंडळाच्या प्रतिनिधीन, प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उपक्रमाचे प्रदुशण स्तर अती सांपडिल्ल्यान वावरांत घट करपाचो आदेश तांकां दिला, अशें सांगलें.

n. आयजचे तारखेक कोळसो प्रदुशण उणें जाल्ल्याचें गों.रा.प्र.नि. मंडळाचे नदरेक आयलां ? असो प्रस्न मंडळाक केलो.

o. मंडळाच्या अधिकाऱ्यांक जाप दिवंक जालीना, देखून मंडळ आपलें कर्तव्य करिना.

p. भौशीक सुनावणेक हाजीर आशिल्ल्या लोकांचे मागणे वेल्यान मंडळान केल्ले ध्वनी-प्रदुशण तपासणे वेल्यान, एका प्रकल्पाक लागून जावपी ध्वनी-प्रदुशण 75 डी बी (ए) आसा, जाल्यार दोनूय उद्देग चालू आसतकीच तें निश्चीतपणान चड आसतलें.

q. प. मंडळाच्या प्रतिनिधीक लोकांनी विचारिल्ल्या प्रस्नांक जापो दिवपाचो अधिकार आसा व्हय? असो प्रस्न केलो. अध्यक्षांनी मंडळाच्या प्रतिनिधीक तसो अधिकार आसा, अशी जाप दिली.

r. मंडळाचे पदाधिकारी जापो दिनात हाचो अर्थ ते जिंदाल आनी अदानी तेंको दितात. अशें तांणी सांगलें.

s. पुराय वेवस्था कोलमडल्या, अशें तांणी सांगलें.

t. ही भौशीक सुनावणी बरे तरेन घेवंक अध्यक्षांक अपेस आयलां.

u. आपूण ही सुनावणी प. प्र. त. अधिसुचोवणे प्रमाण घेतां, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

v. लोकांक उलोवपाक फकत 5 मिनटां खंयच्या कायद्या खाला दिल्यांत, अशें तांणी विचारलें. ताचेर जांणी उलोवपाक नांवां दिल्यांत त्या सगळ्यांक उलोवपाक मेळचें म्हूण वेळेची मर्यादा घातल्या, अशें अध्यक्षांनी सांगले. लिखीत हरकती दिवं येतात, अशेंय तांणी सांगलें.

71. अध्यक्षांनी श्री. उद्धव पोळ हांकां उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

72. अध्यक्षांनी श्री. नाजिर खान उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

सगळ्या लोकांची गों.रा.प्र.नि. मं., जिल्ल्याधिकारी आनी उप-अधिकारी, वास्को हांच्या कार्यालयांनी हरकती/ निवेदनां भेटोवं येतात अशें सांगून सुनावणेची प्रक्रिया सुरळीत करपाचे नदरेन दरेकल्याक पाच मिनटां दितले अशें सांगलें. त्या भायर दरेकल्याक लिखीत निवेदनां लेगीत भेटोवं येतात अशें तांणी सांगलें. जायत्या लोकांनी हे गजालीक विरोध केलो पूण अध्यक्षांनी त्यो हरकती मानून घेवंक नात.

**73. <u>श्री. एडवीन डिसोजा, वास्को, खारेवाडो.</u>**

a. आपूण एक बाधीत व्यक्ती आसां.
b. आपूण निशेधा सयत सादरीकरण करतां.
c. लोकांक मुक्तपणान उलोवपाची परवानगी ना.
d. उलोवपा वेळे वयली मर्यादा काडून उडोवची.
e. खारीवाडया वयल्या लोकांक कोळसो खावपाची आनी पिवपाची सक्ती जाल्या.
f. प्रकल्प प्रस्तावका कडेन सुखेची परवानगी नासतना लेगीत विस्तारा खातीर परवानगी कशी दिवं येता?
g. प्र. प्र. न सगळी कोळसो हाताळणी बंद करची. प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.

**74. <u>श्री. जैंक डिं सिल्वा, गोंयकार, वास्को</u>**

a. आपूण निशेधा सयत उलयतां.
b. आपलें घर दर्यादेगेर आसा.
c. आपूण गोंयकार आसा, भायलो न्हय.
d. काल एम.पी.टी. च्या अध्यक्षाक सुनावणेक येवन लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाची विनवणी केल्ली. पूण आपूण व्यस्त आसा, अशें सांगून तो आयलो ना. पूण प्रसिध्दी पत्रकां काडपाक मात ताका वेळ आशिल्लो.
e. ड. एम.पी.टी. च्या अध्यक्षान गोंयकारांचो अपमान केला.
f. सद्याची कोळसो हाताळणी तशेंच 5ए आनी 64 बर्थ हांकां लागूनचें प्रदुशण हाताभायर गेलां आसतना प्र. प्र. क विस्तारा खातीर कशी परवानगी दिवं येता?

**75. <u>ग्रासियस कुतिन्हो, वास्को</u>**

a. ओल्ड क्रॉस फिशिंग सोसायटीचो सचिव.
b. आपणाक जायतें उलोवपाचें आसा, पूण वेळेची मर्यादा 5 मिनटां आशिल्ल्यान चड उलोवपाक मेळना.
c. वास्कोंतले कोळसो हाताळणेक विरोध केल्लो.
d. आपलो इश्ट फुफ्फुसाच्या दुयेंसाक लागून मेलो. आपलो बापूय लेगीत फुफ्फुसाच्या कॅन्सराक लागून मेलो.
e. वास्कोंत उदकाचो उणाव आसा, पूण एम.पी.टी. मात 7 लाख लीटर उदक वापरता.
f. वास्कोंतल्या कोळश्यां-ट्रक-येरादारीचेर प्र.नि.मं.चें नियंत्रण आनी देखरेख ना. आपणाक वास्कोंतल्या रस्त्यांचेर कोळसो दिश्टी पडटा.
g. वास्को खाडींत कोळसो भरिल्ल्यान नुस्तेंमारी उणावल्या आनी देखून मंडळाक कारवाय करपाची विनवणी केली.
h. वास्कोंत कोळसो प्रदुशण जाल्ल्यान नुस्तेकारांक वास्कोंत रावपाक मेळना आनी देखून तांकां रोजगार मेळना. वर्स दोन वर्सां भितर तांकां वास्को सोडचें पडटा.
i. खूब उलोवपाचें आसा पूण वेळ सोंपिल्ल्यान थांबतां.

j. ड्रेजिंग विशयांतली सुनावणी केन्ना सुरू जातली? आपणाक ते वेळार परतो येवन उलोवपाचें आसा, अशें तांणी अध्यक्षांक विचारलें. ताचेर अध्यक्षांनी ती सुनावणी दनपरां 2:45 वरांचेर सुरू जातली, अशें सांगलें.

k. रजिस्टरांत नोंद जाल्ले प्रमाण उलोवप्यांची नांवां वाचून दाखोवपाची मागणी केली.

l. ताचेर अध्यक्षांनी ताका ड्रेजिंग सुनावणे वेळार 2:30 वरांचेर सुरवेक उलोवपाक परवानगी दितले, म्हूण जाप दिली.

76. **<u>सुरेश नायक, वास्को :</u>**

a. जे.एस.डब्ल्यू., अदानी हांच्या एम.पी.टी.न मान्यताय दिल्ल्या उपक्रमाक लागून जावपी कोळसो प्रदुशणाक खर विरोध केलो.

b. धुल्ल प्रदुशणाक लागून जायते अपघात घडटात. धुल्लाक लागून मुखार दिसपाचें प्रमाण उणें जाता आनी अपघात घडटात.

c. जिल्ल्याधिकारी आनी मंडळ कोळसो धुल्ल प्रदुशण थारावपाक कांय कारवाय करिना. मंडळान कितें कारवाय केल्या? असो प्रस्न विचारलो.

d. कोळसो हाताळपी कंपन्यांक तांचे उत्पादन 25% उणें करपाचो आदेश दिलो, अशी जाप मंडळान दिली.

e. धुल्ल प्रदुशणाक लागून वास्कोकारांक मास्क वापरचे पडटात. लोकांक मंडळ मास्कांची पुरवण करतलें व्हय, ताची जाप तांणी मंडळाक विचारली.

f. आयजचे तारखेक कोळसो धुल्ल प्रदुशण उणें जालां व्हय? असो प्रस्न मंडळाक तांणी हालींच वास्कोंत केल्ले भों.ह.गु. तपासणे वेल्यान विचारलो.

g. मंडळाच्या प्रतिनिर्धीनी कांयच जाप दिवंक ना, हाचो अर्थ तांणी तांचें कर्तव्य करूंक ना.

h. भौशीक सुनावणेंत लोकांचे मागणे प्रमाण मंडळान केल्ल्या ध्वनी-प्रदुशणाचे तपासणेच्या अहवाला प्रमाण, उद्देग सुरू आसतना ध्वनी-प्रदुशण स्तर 75 डीबी(ए) आशिल्ले नोंद जाल्ल्यात, जे दोनूय उद्देग चालू आसल्यार मर्यादा हुपतले.

i. मंडळाच्या प्रतिनिधीक लोकांनी विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दिवपाचो आधिकार आसा? असो प्रस्न केलो. ताचेर अध्यक्षांनी तांकां तसो अधिकार आसा, अशें सांगलें.

j. मंडळ जापो दिवंक न्हयकार दिवन अदानी आनी जिंदाल हांकां तेंको दिता.

k. पुराय वेवस्था अपेशी थारल्या.

l. अध्यक्षांक ही भौशीक सुनावणी घेवंक आयलीना.

m. ताचेर अध्यक्षांनी आपूण ही सुनावणी प.प्र.त. अधिसुचोवणे प्रमाण घडोवन हाडटा, अशें सांगलें.

n. खंयच्या कायद्या प्रमाण  लोकांक फकत 5 मिनटां उलोवप दिलां? असो प्रस्न विचारलो. ताचेर जाप दितना नांव नोंदणी केल्या त्या सगळ्या लोकांक उलोवंक मेळचें म्हूण आपूण अशें केलां, अशें सांगलें. त्याभायर लिखीत निवेदनां भेटोवं येतात - तांणी फुडें सांगलें.

77. पीटर आंद्राद हे  भैशीक सुनावणेच्या पयल्या दिसा, म्हणल्यार 26/04/2017 दिसा उलयल्यात, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

**78. <u>कुस्तोदियो डि'सौजा, खारीवाडो.</u>**

a. ओल्ड क्रॉस सोसायटीचे अध्यक्ष आनी 'गोवा अगेन्स्ट कोल' चे निमंत्रक
b. आपल्याक उलोवपाक कितलीं मिनटां मेळटली? असो प्रस्न विचारलो.
c. अध्यक्षांनी तांका 6 मिनटां मेळटलीं अशें सांगलें.
d. उलोवपाचे वेळेचेर मर्यादा घालपाच्या अध्यक्षाच्या आदेशाचेर कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो.
e. ड. आपूण दरेकल्याक उलोवपाक 5-6 मिनटां वेळ दिवपाचो आदेश दिल्ल्याचें अध्यक्षांनी सांगलें.
f. हो आदेश आयजच्या दिसाची सुनावणी चालू जातना आपणें काडिल्ल्याचें सांगलें. हो आदेश खंयच्या कायद्या खाला काडला? असो प्रस्न तांणी केलो.
g. अध्यक्ष आपल्या प्रस्नाक जाप दिना आनी आपल्याक 6 मिनटां उलोवपाची सक्ती करता, अशें तांणी सांगलें.
h. लोक आपल्यो अडचणी/प्रस्न घेवन उलोवपाक आयल्यात, तांका 5 मिनटांची मर्यादा पावना, अशें तांणी सांगलें.
i. अध्यक्षांनी वेळेचेर मर्यादा घालपाचो आदेश लिखीत स्वरुपांत दिवपाची आनी आता मेरेनचें इतिवृत्त वाचून दाखोवपाची मागणी तांणी केली.
j. त्र. व्यासपिठाचेर तीन व्यक्ती कश्यो बसल्यात काय म्हूण तांणी विचारलें.
k. जिल्ल्याधिकारी वा अतिरिक्त - जिल्ल्याधिकारी आनी गों.रा.प्र.नि. मं. चो प्रतिनिधी सुनावणेचें अध्यक्षपद करतात अशें अध्यक्षांनी सांगले. अतिरिक्त-जिल्ल्याधिकारी आपणाक इतिवृत्त नोंद करपाक मदत करता, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.
l. हे भौशीक सुनावणेचो अध्यक्ष कोण? असो प्रस्न तांणी विचारलो.
m. अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यान ही भौशीक सुनावणी बरे तरेन चलयल्ली. आयज जित्ल्याधिकारी आडखळी उत्पन्न करता आनी वेळेचेर मर्यादा घालता, अशें तांणी सांगलें.
n. तांचो उलोवपाचो वेळ सोंपिल्ल्यान तांणी सकयल देंवचें असो आदेश अध्यक्षांनी दिलो.

79. अध्यक्षांनी श्री.आरकान्झ गुरजांव हांकां आफयले, ते हाजीर नाशिल्ले.
80. अध्यक्षांनी श्रीमती पुजा मित्रा गुरजांव हांकां आफयले, त्यो हाजीर नाशिल्ल्यो.
81. अध्यक्षांनी श्री. देवू काणकोणकार हांकां आफयले, ते हाजीर नाशिल्ले.
82. अध्यक्षांनी श्री. एनरिको डायस हांकां आफयले, ते हाजीर नाशिल्ले.
83. अध्यक्षांनी श्री. साल्वादोर फर्नाडीस हांकां आफयले, ते हाजीर नाशिल्ले.
84. अध्यक्षांनी श्रीमती प्रिसिलिया फर्नांडीस हांकां आफयले, त्यो हाजीर नाशिल्ल्यो.

**85. <u>श्री. कस्तोदियो डि'सौज</u>**

a. मॅक्सी कुरैय हांकां सुनावणेंत उलोवपाक आफयतकीच तांकां वाट मेकळी करुन दिवपाक न्हयकार दीत तांणी पोडियम सोडूंक न्हयकार दिलो. अध्यक्षांनी तांकां चडावत 5 मिनटां दिवन ते उपरांत पोडियम सोडपाचो आदेश दिलो.

b. खंयचे तरतुदी खाला अध्यक्षांनी उलोवप्यांचे वेळेचेर मर्यादा घातल्या तें जाणून घेवपाक प्रस्न केलो.
c. तांणी उलोवपाक 2 वरांचो वेळ मागलो, पूण अध्यक्षांनी ताका फकत 5 मिनटां मेळटलीं, अशें सांगलें.
d. आपूण पोडियम सोडचो ना आनी अध्यक्षांनी आपणाक बळजबरीन पयस काडचें पडटलें, अशें. तांणी सांगलें.
e. एम.पी.टी. च्या अध्यक्षांनी भौशीक सुनावणेक भायले लोक येतात आनी वास्कोकारांचो प्रकल्पाक विरोध ना, अशें वक्तव्य केलां, तें तांणी न्हयकारलें आनी आपूण वास्कोकार अशें सांगलें. भौशीक सुनावणेक एम.पी.टी. चे प्रतिनिधी कोण तें जाणा जावपाची इत्सा परगटायली.
f. ताच्या विधानाचें खरेंपण करपाक एम.पी.टी. च्या अध्यक्षाक सुनावणेक आफोवन घेवपाक जाय अशी मागणी केली.
g. कलेक्टरान आदेश जारी करुन ताका काडून उडोवपाची मागणी केली.
h. दक्षिण गोंयच्या जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी आयजचे सुनावणेक हजर रावन कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न निर्माण केला.
i. सगळ्या लोकांक उलोवपाची समान संद दिवंक जाय. ही सुनावणी गंभीर आसा आनी वास्को आनी गोंयच्या फुडारा कडेन संबंदीत आसा.
j. लोकांक आपल्यो हरकती सादर करपाक 02/05/2017 मेरेन दिवपी आदेश जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी खंयचे तरतुदी खाला काडला? तें सांगपाची विनवणी केली.
k. आपूण प. प्र. त. अधिसुचोवणे प्रमाण घालून दिल्ली प्रक्रिया पाळटां अशें अध्यक्षांनी सांगलें. सगळ्या लोकांक उलोवपाक समान संद मेळची म्हूण आपणें वेळ निर्धारीत केल्या अशें अध्यक्षांनी सांगलें.
l. आपलें सादरीकरण करुंक प्रकल्प प्रस्तावकान कितलो वेळ घेतिल्लो, तें जाणून घेवपाची मागणी केली. कलेक्टर प्रकल्प प्रस्तावक आनी लोक हांचे मदीं भेद करता, अशें तांणी सांगलें.
m. उलोवपाचेर 5 मिनटांची मर्यादा भौशीक सुनावणेच्या पयल्या दिसाच घालपाक जाय आशिल्ली. काल अतिरिक्त कलेक्टरान उलोवपाची मर्यादा 5 मिनटां, असो उल्लेख कित्याक करूंक ना?
n. अध्यक्षांनी ताका सांगलें, ताचीं 20 मिनटां जालीं तरी ताणें आपलें सादरीकरण करुंक ना.
o. गों.रा.प्र.नि. मंडळान आयज खबरापत्रांत जारी केल्ले सुचोवणे भितर 5 मिनटांचे मर्यादेचो उल्लेख ना. देखून वेळेचेर मर्यादा कलेक्टरान घातल्या काय हेर कोणें, तें जाणा जावन घेवपाची इत्सा परगटायली.
p. वेळेची मर्यादा काल सांगूंक जाय आशिल्ली, आयज 10:30 वरांचेर न्हय.
q. खंयचे कायदो आनी सुव्यवस्थे खाला 5 मिनटांची वेळमर्यादा लागू केल्या ताची जाप दिले बगर आपूण सादरीकरण करूंक शकना.
r. पुलीस आनी कलेक्टरान आपल्याक बळजबरेन हालयलो अशें कस्तोदियो डि’सौज हांणें सांगलें.

**86. <u>मॅक्सी कुरैय, वाडें</u>**

a. आपूण निशेध करून उलयतां.
b. भौशीक सुनावणेक पुलीस कित्याक दवरल्यात?
c. पुलीस भौसाक धमकायतात.
d. आपूण कॅन्सर पेशंट आसां. आपूण भौसा सयत पोडियमाचेर वळवळटां जाल्यार अधिकारी मात सुशेगाद बसल्यात.
e. एम.पी.टी. चो कोणूय प्रतिनिधी माचयेर आसा काय म्हूण ताणें निशेधान विचारलें. अध्यक्षांनी तीनूय प्रकल्प एकामेका परस वेगळे अशी जाप दिली.
f. जे.एस. डब्ल्यू. च्या अधिकाऱ्यांनी आपली वळख करुन दिली.
    - श्री. आर. आर. पात्रा - उपाध्यक्ष
    - एन्थनी फर्नांडीस - युनिट मुखेली.
g. कोळसो प्रदुशणाक लागून दुयेंत पडपी पेशंटांक मदत करुंक जे.एस.डब्ल्यू. न कसलीं पावलां उबारल्यांत? असो प्रस्न केलो. लोकांच्यो हरकती नोंद करुन घेतले आनी तांकां मागीर जाप दितले अशें जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रतिनिधीन सांगलें.
h. लोकांच्यो सगळ्यो हरकती नोंद करुन निर्णया खातीर ई. ए. सी. क धाडटले अशें अध्यक्षांनी सांगलें.
i. हे भौशीक सुनावणेक लागून कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न उप्रासल्यार अध्यक्ष जापसाल आसतलो काय म्हूण प्रस्न अध्यक्षाक केलो.
j. ह्या प्रकल्पाक आजून मान्यताय मेळिल्ली ना आनी तो फकत मुळावे स्थितींत आसा आनी लोकांच्यो हरकती लक्षांत घेतल्या उपरांतच ई. ए. सी. ताचेर विचार करतली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.
k. जे.एस.डब्ल्यू. तांच्यो कोळश्यांच्यो राशी धांपता वा ना असो प्रस्न विचारलो. कोळश्यांच्यो राशी ताडपत्रेन आनी कन्वेयर पट्टे लेगीत शक्य थंय धांपतात, तशेंच एक धांपिल्ली शेड बांदपाचो प्रस्ताव आसा, अशी जाप जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रतिनिधीन दिली.
l. आपली वेवस्थापनाची सराव-चांचणी जे.एस.डब्ल्यू. न निमाणी केन्ना केल्ली? असो प्रस्न विचारलो. प्रस्नाक लिखीत जाप दितले अशें प्रतिनिधीन सांगलें.
m. इंधनाचो आनी अमोनिया टांकयांचो स्फोट जाल्यार जे.एस.डब्ल्यू. कडेन आपली वेवस्थापनाची कसलीच येवजण ना.
n. ह्या मुद्दयाचेर जे.एस.डब्ल्यू. कडल्यान जापेची मागणी केली.
o. अध्यक्ष भौशीक सुनावणेच्या सुरळीत कामकाजांत बादा हाडटा.
p. भौसाच्या प्रस्नांक जे.एस.डब्ल्यू. जापो दिनाशिल्ल्याची नोंद जाली.
q. जर जे.एस.डब्ल्यू. 7 दशलक्ष लीटर उदर वापरतली जाल्यार थळाव्यांक उदका पुरवण कशी जातली? प. प्र. त. अहवालांत ह्या उदकाचो स्रोत सांगिल्लो ना.
r. आपल्या उद्देगांत जे.एस.डब्ल्यू. थळाव्या गोंयकारांक रोजगार दिना.

s. आपलें पुराय सादरीकरण नोंद करुन घेवपाची विनवणी तांणी केली. जिल्ल्याधिकारी ह्या नात्यान ताणेंय लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाक जाय.

t. आपूण निशेधा खाला सादरीकरण करतां- वेळेचेर घातिल्ले मर्यादेक लागून - हाचो ताणे पुनरुच्चार केलो. कालचे सुनावणेंत लोकांक जायतो वेळ दिल्लो, अशें ताणें सांगलें.

अध्यक्षांनी प्रिसिलिया फर्नांडीस हांकां उलोवपाक आफयलें, पूण त्यो गैरहजर आशिल्ल्यो.

**87. <u>सॅड्रिक डि'सौज, राय</u>**

a. अध्यक्षांन फकत 5 मिनटां उलोवपाक दिल्ल्याचो निशेध करुन आपूण उलयतां.

b. भौसाच्या प्रस्नांक जे.एस.डब्ल्यू. चे प्रतिनिधी जापो दिनात.

c. कांय बाधीत पंचायतींक प. प्र. त. अहवालाच्यो प्रती दिवंक ना. जीं गांवां 10 कि.मी. भितर पडटात तांकां अहवाल दिवप गरजेचें आनी तांकां अहवाल भेटयला, अशें अध्यसांनी सांगलें. ह्या विशयाचेर ई.ए.सी. निर्णय घेतली आनी गांवक-यांक सुनावणे खातीर आफोवप काय बाधीत गांवा खातीर सुनावणी घेवप तें थारायतली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें. आपलें कर्तव्य लोकांचीं मतां नोंदोवन तीं निर्णया खातीर ई. ए. सी. कडेन धाडपाचें आसा अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

d. डॉ. मोहन गिरप ह्या गों.रा.प्र.नि.मं. च्या अधिकाऱ्यांनी आपली वळख करुन दिली.

e. 26/04/2017 दिसा ध्वनी प्रदुशण संबंदान गों.रा.प्र.नि.मं. कडेन प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उद्देगांत तपासणी करपा दिशींचे विनवणेचो संदर्भ तांणी दिलो.

f. ही तपासणी मंडळान केल्या आनी तिचो अहवाल तयार आसा आनी ताचे वेल्यान ध्वनी-स्तर 75 डी बी नोंद जाल्या अशी जाप, गों.रा.प्र.नि. मंडळान दिली. ह्या प्रस्नाचेर मंडळान कितें कारवाय केल्या? असो प्रस्न तांणी विचारलो.

g. नोंदी तपासून अहवालाचेर प्रक्रिया केल्या उपरांत कारवाय सुरु करतले, अशें गों.रा.प्र.नि. मंडळाच्या प्रतिनिधीन सांगलें.

h. कार्यान्वयन मंजुरी फाटीं घेतले, काळ-मर्यादा कितें आसतली असो प्रस्न तांणी विचारलो. प्रक्रियेक वेवस्थीत पाळो दितकीच कारवाय करतले अशें गों.रा.प्र.नि. मं. च्या प्रतिनिधीन सांगलें. जसो लोकांक उलोवपाक थरावीक वेळ दिला, तेच तरेन मंडळान लेगीत वेळापत्रक करुन वावर करूंक जाय, अशें तांणी सांगलें.

i. आपूण एका दिसा भितर हे कागाळेची जाप दितां अशें गों.रा.प्र.नि. मं. च्या अधिकाऱ्यान सांगलें.

j. एम.पी.टी. न हॉस्पिटल बांदलां वा ना? असो प्रस्न प्रकल्प प्रस्तावकाक केलो. हें हॉस्पिटल खंय आसा? असो प्रस्न गों.रा.प्र.नि. मं.डळाक केलो. हॉस्पिटला मुखार कोयराच्यो राशी पडल्यात, अशें तांणी सांगलें.

k. विकसनशील राष्ट्रां लेगीत तांची बंदरां आनी धक्के गर्देच्या वाठारा सावन पयस उबारतात.

l. आपली वेवस्थापन येवजणे विशीं विचारतकीच जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी आपली वेवस्थापन येवजण आसा, अशी जाप दिली.

m. व्हडल्या बोटींतल्यान आनी जेटीं वेल्यान व्हांवन वचपी कोळश्यांतल्या उदकाचो विचार केला? असो प्रस्न केलो.

n. आपूण 5 ए आनी 6 ए चो विस्तार आनी हेर दोन प्रकल्पांक विरोध करतां आनी गों.रा.प्र.नि. मं. चे बेपर्वा कारवायेचो निशेध करतां.

o. एप्रील, 2016 म्हयन्यांत एक टग बोट आनी पोन्टून मुंगरिल्ली तेन्ना आपली वेवस्थापनाची वेवस्थीत उपकरणां नाशिल्ल्यान आपली वेवस्थापन टिमीक प्रस्न सोडोवंक आठ दीस लागिल्ले. आतां मेरेन दुर्घटना घडूंक ना हें तांचें नशीब पूण दरेक फावर नशिबाचेर पातयेवंक जायना. केपसायज बोटींक लागून जावपी संकट अचकीत आनी व्हड आसू येता हाची बेसबरी देख म्हणल्यार कांदोळी हांगा मुंगरिल्ले रिव्हर प्रिंसेस जहाज, जें काडूंक 12 वर्सां लागलीं.

## 88. <u>मादालिन पैरैरा</u>

a. आपूण कॅन्सर पेशंट आसां आनी जेश्ठ नागरीक आसां, अशें तिणें सांगलें.

b. फाटले तीन दीस आपूण सुनावणेक बसून रावल्यां. प्रकल्प प्रस्तावकान वास्को शाराचेर हाडूंक सोदिल्ल्या अत्याचारांक विरोध करपा खातीर उलोवपाचें थारायलां.

c. आपूण वास्को शारांतच वाडल्या आनी वास्को दर्यावेळेचेरच पेंवपाक शिकल्या.

d. आदल्या तेंपार वास्को एक दर्यावेळ आसली आतां ती एम.पी.टी. न खणून नश्ट केल्या.

e. एम.पी.टी., अदानी आनी जिंदाल हांणी वास्को दर्यावेळ आनी परिस्थितिकी नश्ट केल्या.

f. वास्कोचें सौंदर्य नश्ट केलां.

g. सुनावणेक पुलीस दवरपाक हरकत आनी पुलीस धमकायतात अशें सांगलें.

h. आपलें जिवीत, फुडार, भुरगीं, हांचे खातीर लडपाक वास्कोकार हे सुनावणेक आयल्यात, कायदो आनी सुवेवस्या निर्माण करपा खातीर न्हय.

i. वास्कोंत कोळसो-क्रांती करुं नाका, अशी विनवणी प्रकल्प प्रस्तावकाक केली.

j. आतां मेरेन भौसान मांडिल्ल्या मतां वेल्यान एम.पी.टी. आनी कोळसो हाताळणी प्रकल्प गोंमाक नश्ट करतलें हें स्पश्टपणान दिसता आनी कंपनी कडेन वास्कोचें पर्यावरण राखपा खतीर कसलीच येवजण ना.

k. कोळसो प्रदुशणाक लागून भुरग्यांक 'ऑटीजम' जावं येता.

l. सगळ्या उलोवप्यांनी अभ्यासपूर्ण सादरीकरणां केल्ले खातीर उपकार मानले. ह्या सादरीकरणांक लागून सर्वसामान्य लोकांक हो प्रकल्प बऱ्याचो न्हय, हें प्रकल्प प्रस्तावक, कलेक्टर आनी गों.रा.प्र.नि. मंडळाक कळ्ळें, अशें तिणें म्हणलें.

m. आपूण जें मत मांडटां, तें तीनूय प्रकल्पां खातीर आसा आनी तीनूय भौशीक सुनावण्यांच्या इतिवृत्तांत तें नोंद करुन घेवचें.

n. खूब भुरग्यांक पल्मनरी दुयेसां (खांकी कडेन संबंदीत) जाल्यांत.

o. वास्कोच्या नागरिकांचेर कित्याक अत्याचार करतात, असो प्रस्न प्रकल्प प्रस्तावकाक केलो. देशाच्या फायद्या खातीर वास्कोकारांक कोळश्याचो स्वास घेवचो पडटा.

p. कोळसो प्रदुशणाक लागून जिवीत व्हशडायल्या जायत्या जाणाक ती वळखताली.

q. भौशीक सुनावणी सुरु जावचे पयलीं, सुचोवणी दिल्ल्याच्या काळांत, दर्यावेळेचेर कोळसो धुंवून सोडून दिल्लो, जी प्रकल्प प्रस्तावकान केल्ल्या प्रदुशणाची गवाय आसा.
r. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उद्देगांतल्यान कोळसो लोकांच्या घरांनी रिगता.
s. गोंयची माती तांबडी, पूण वास्कोची माती काळी.
t. प्रकल्प प्रस्तावकाक चड कोळसो आयात करपाची परवानगी दिली जाल्यार प्रदुशयण उणें जावचें ना, वाडटलें.
u. कोळश्याची आयात वाडिल्ल्यान कोळश्याच्या राशींची उंची वाडटली आनी ताका लागून त्यो धांपप शक्य जावचें ना.
v. वास्कोच्या लोकांच्या तोंडाक गुड्डो मारला आनी तांच्या उलोवपाचेर बंदी घातल्या.
w. सोनशीचो खण-वेवसाय कित्याक बंद जालो? तशीच कारवाय वास्कोंत कित्याक करपाक जायना?
x. संविधानीक हक्क आशिल्ल्यान नितळ हवेची मागणी केली.
y. पुर्तुगेजां तेंपार गोंय मुळाव्या स्वरुपांत आशिल्लें. आपणाक सर्गेस्त कवी मनोहरराय सरदेसायाची याद येता.
z. वास्कोकारांचेर कोळसो हाताळपी टोळयांचो शेक चलता.
aa. पुर्तुगेजांनी स्थापन केल्ल्या नुस्तें - उद्देगांत बरी नुस्तेमारी जाताली, पूण आयज न्हंयेंत प्रदुशण जाल्ल्या कारणान नुस्तेमारीचें प्रमाण देंवलां.
bb. हेर राज्यांच्या फायद्या खातीर गोंयांत कोळसो आयात करतात.
cc. श्री. कुस्तोद हांणी कोर्टांत वचून, दर्यांत खोदकाम करपाची एम.पी.टी. ची बेकायदेशीर कृती उक्ताडाक हाडून एम.पी.टी. चो प्रकल्प रद्द करुन घेतिल्ले खातीर तांणी तांकां स्रेय दिलें.
dd. झुवारी न्हंयेचें खोदकाम करप म्हणल्यार तिचेर बलात्कार करप.
ee. पोडियमाच्या सामकें लागी पोलीस उबे राविल्ले खातीर विरोध केलो.

**89. <u>फ्रांसिस गोन्साल्वीश</u>**

a. ताणें नाझीर खान, वास्को हाका उलोवपाची संद दिली.
b. प्रकल्प प्रस्तावकांचें सादरीकरण करपी अनुवादकाक माचयेर आफयलो.
c. अनुवादकान डॉ. भावे अशी आपली वळख करुन दिली.
d. प्रकल्प प्रस्तावकाचें सादरीकरण अनुवादकान कांय मिनटां भितर कशें केलें ? जेन्ना लोकांक सादरीकरण करुंक 2 वरां लागतात? असो प्रस्न तांणी केलो.
e. प्रकल्प प्रस्तावकाचे वतीन आनी कंपनीन जी माहिती दिल्या तिच्या आदारान आपूण सादरीकरण केलां, अशें अनुवादकान सांगलें.
f. भौशीक सुनावणेक मुरगांव मतदार संघाचो एक लेगीत आमदार हाजीर ना. कोळसो प्रदुशण आनी प्रकल्प हे विशीं आमदारांची भुमिका जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली.
g. एका फास्ट-फुडाचे चिमणेंतल्यान कितलें प्रदुशण जाता? असो प्रस्न गों.रा.प्र.नि.मं.क विचारलो. मंडळाच्या प्रतिनिधीन तें प्रमाण थारावंक येना, अशी जाप दिली.

h. एके कागाळेचेर आदारुन मंडळ लायसेन्सा बगरच्या ल्हान उद्देगांचेर कारवाय करता. पूण एम.पी.टी., अदानी आनी जे.एस.डब्ल्यू. सारक्या कोळसो हाताळपी उद्देगांचेर मात कांयच कारवाय करिनासतना फकत अर्थशुन्य नोटिशी धाडटा.

i. कोळसो प्रदुशणाक लागून वास्कोंतलीं भुरगीं अस्थमा जावन दुयेंत पडटात, पूण गों.रा.प्र.नि.मं. कारवाय करिना.

j. 16/02/2016 तारखेच्या पत्र क्र. 1/20/15 - प्र.नि.मं./ टॅक/ 1091 वरवी प्र. नि. मंडळान मे. एम.पी.टी., एस.डब्ल्यू.पी.एल. आनी अदानीक सकयल्ल्यो गजाली करपा खातीर नोटिशी धाडिल्ल्यो:

- ट्रकांचे ओवर लोडिंग करप ना.
- कोळश्यांची उंची 5 मी. परस उणी आसूंक जाय. पूण ही उंची 5 मी परस चड जावन लेगीत कारवाय करुंक ना.
- कोळसो स्टॅकयार्डांन उदकाची फवारणी करुंक जाय. मंडळाच्या आदेशांची पुर्तताय जाल्या वा ना हें जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली.
- कोळश्यांच्या राशींचेर ताडपत्री धांपप. तीनूय कंपन्यांनी हाका पाळो दिल्लो ना, तरीय कांयच कारवाय केल्ली ना.
- ट्रकांचेर ताडपत्री घालप. कोळसो आनी वुडचिप्स व्हरपी ट्रक धांपिल्ले आसनात.
- उदक फवारणेक प्रवाह मीटर बसयल्ले नात, असो आरोप तांणी केलो.

k. हें सगळें केलां वा ना असो प्रस्न जें.एस.डब्ल्यू. आधिकाऱ्यांक केलो. श्री. एन्थनी फर्नांडीस (एस.डब्ल्यू.पी.एल. चे मुखेली) हांणी मंजुरेंतल्या अटीं प्रमाण ते गों.रा.प्र.नि. मंडळाक म्हयनाळी अहवाल धाडटात अशी जाप दिली.

l. जे.एस.डब्ल्यू म्हयनाळी अहवाल धाडटा, सप्तकी न्हय, अशे तांणी सांगलें.

m. पत्रा प्रमाण मंडळाक सप्तकी अहवाल येवपाक जाय, पूण कंपनी तसो धाडिना. कोळसो प्रदुशणा संबंदात मंडळा कडेन वास्कोच्या लोकां कडल्यान आयजचे तारखे मेरेन कितल्यो कागाळी पावल्यात? असो प्रस्न मंडळाक केलो. गों.रा. प्र.नि.मं.च्या अधिकाऱ्यान ते संबंदीच्यो नोंदी तपासून ते प्रमाण कळीत करतले, अशी जाप दिली.

n. ह्या विशयांत ताणें प्रधानमंत्र्याच्या कार्यालयाक पत्र बरयलां. प्रधानमंत्र्याच्या कार्यालयान मुखेल सचिवाक कारवाय करपाक सांगल्या. जर प्रधानमंत्र्याच्या कार्यालयाक ताच्या पत्राक जाप दिवपाक जाता, जाल्यार राज्य सरकार कित्याक जाप दिनात? असो प्रस्न विचारलो.

o. आयजचे भौशीक सुनावणेक येतना एम.पी.टी./जे.एस.डब्ल्यू. चे अधिकारी तयारी करुन आयले नात, देखून ताचेर कारवाय करपाची मागणी.

p. जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध.

q. उद्देग कडल्यान लाब जाल्ल्या कारणान आमदार ह्या प्रकल्पाक विरोध करिना, अशें ताणें सांगलें.

90. अध्यक्षांनी श्री. वसंत नायक हांकां उलोवपाक आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

91. अध्यक्षांनी श्री. महम्मद युसूफ खान आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

**92. <u>श्री परशुराम शेट्ये</u>**

a. कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो आनी कलेक्टराक सुनावणेक उलोवपा खातीर पब्लीक रजिस्टर उजवाडावपाची मागणी केली.

b. कलेक्टरान जेवणाची सुटी घोशीत करून द. 2:45 क सगळ्यांक परतून आफयले.

93. अध्यक्षांनी श्री. वसंत नायक हांकां उलोवपा खातीर आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

94. अध्यक्षांनी श्री. अब्दूल रहमान शेख हांकां उलोवपा खातीर आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

95. अध्यक्षांनी श्री. महम्मद युसूफ खान हांकां उलोवपा खातीर आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

96. अध्यक्षांनी श्री. हॅन्री डिमेलो हांकां उलोवपा खातीर आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

97. अध्यक्षांनी श्री. निकलांव सातिबेर हांकां उलोवपा खातीर आफयले, पूण ते हाजीर नाशिल्ले.

98. <u>श्री. आरावजो (निकलांव सातिबेर हांच्या वांट्याक उलयले.)</u>

a. आपूण फाटले तीन दीस सुनावणेक हाजीर आसां. आयज स्थगीत जाल्ली सुनावणी आसा. कोळसो वृद्धी संदर्भांत आपलीं मतां अशीं आसातः

- धक्क्याची स्थिती साप्प वायट आसा आनी ताचे वयल्या कामगारांक लेगीत संरक्षक उपकरणां मेळनात. प्रकल्प प्रस्तावकान कर्मचाऱ्यांक वैयक्तीक संरक्षक उपकरणां दिवंक जाय.
- प्रकल्प प्रस्तावकान निर्धारीत उंचाये परस उंच कोळश्यांच्यो राशी मांडल्यात आनी त्यो उक्त्योय दवरल्यात.
- फवारणेचें उदक थेट न्हंयेंत वचून उदक आनी नुस्त्याचें संदुशण करता.
- फवारणेक वापरिल्ले उदक कच्चे सांडपाणी आसता, ताका घाण येता जिचो त्रास आशीकुशीच्या लोकांक जाता.
- प.प्र.त. सादरीकरण पुराय रितीन फट आसा.
- बुडचीप हाताळणे वेळार जी गळटी जाता ती थेट दर्यांत वता.
- प्रकल्प प्रस्तावक मानवी हक्कांचें उल्लंघन करून वावुरता.
- हवा फकत 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतच व्हांवता काय 10 कि.मी. भायर ताजी हवा तयार जाता? असो प्रस्न विचारलो.
- हेर शारांतल्यान वचपी ट्रक आनी रेल्वेंक लागून प्रदुशण जायना? असो प्रस्न विचारलो.
- जे.एस.डब्ल्यू., एम.पी.टी., अदानी आनी गों.रा.प्र.नि.मं.चेर केस दाखल करूंक जाय.
- कोळसो हाताळणेच्या अहवाला संबंदांत आपणें तीन फावट गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन संपर्क केलो, तेन्ना ताका मंडळाच्या वांगडी सचिवाक मेळपाक सांगलें. कांय अधिकाऱ्यांनी ताका कोळसो हाताळणी प्रकल्पांतले प्रदुशक स्तर भोवच चड आशिल्ल्याचें सांगले. प्रदुशणाची नेमकी टक्केवारी कितें? असो प्रस्न ताणें गों.रा.प्र.नि. मंडळाक विचारलो. मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी श्री. आरावजो हांकां ती माहिती मंडळाचे वेबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्याचें सांगले.

- प्रकल्प प्रस्तावकान कंपनीक ह्या प्रकल्पाक लागून कितें फायदो जावचो तें प.प्र.त. अहवालांत नमूद करूंक ना.
- ही सुवात एक पुनर्वशीत जमीन आसा आनी ती भरून काडूंक एक म्हयनो लागतलो.
- लोकांचे भलायकेक कोण जापसाल आसतलो? गों.रा.प्र.नि.मं., अदानी, जे.एस.डब्ल्यू. काय एम.पी.टी.? कोळसो हाताळणेक लागून बाधीत लोकांच्या वखदांच्या बिलांची जापसालकी कोण घेतलो? अशे प्रस्न विचारले.
- वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधी भौशीक सुनावणेक येवंक नाशिल्ल्या खातीर ताणें तांचो खर निशेध केलो. ते कोणाचें प्रतिनिधित्व करतात? जे.एस.डब्ल्यू., अदानी काय एम.पी.टी.चें? ह्या राक्षसांक फाटराखण दिवप ही तांका लजेची गजाल, अशें तांणी म्हणले.
- प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तवाक मंजुरी दिवपाक ताणे खर विरोध केलो.

**99. <u>अभिजीत प्रभुदेसाय, वास्कोः</u>**

a. सुनावणेच्या पयल्या दिसा, 26/04/2017 दिसा लोकांनी विचारिल्ल्या खंयच्याच प्रस्नाक प्रकल्प प्रस्तावकान जापो दिवंक ना, आनी सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो ते दिसा निमाणें दितले अशें सांगिल्ले. पूण आयज मेरेन तांणी प्रस्नांक जापो दिवंक नात.

b. लोकांनी पयल्या दिसा उपस्थीत केल्ले सगळे प्रस्न जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली.

c. लोकांक इतिवृत्तांत दुरुस्ती करपा खातीर तांणी क्लेक्टरा कडल्यान वेळ मागून घेतलो. गरजचे बदल करपा खातीर 06/05/2017 मेरेन वेळ दितले अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

लोकांनी आपल्यो हरकती/सुचोवण्यो/मतां आसल्यार त्यो 7 दिसां भितर गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन सादर करच्यो अशी विनवणी अध्यक्ष/अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी हांणी जमिल्ल्या लोकांक केली. त्यो हे सुनावणेचोच एक वांटो जातल्यो आनी त्यो संबंदीत नियमन प्रधिकारिणीं कडेन धाडटले आनी अशे तरेन मतां आयकून घेवपाचो हक्क बजायतले.

अशे तरेन नोंद केल्ले हें इतिवृत्त लोकांक कोंकणी आनी इंग्लिशींतल्यान वाचून दाखयलें आनी उपरांत ताचेर सुचोवण्यो येतकीच आनी तें मान्य जातकीच ताचेर श्री. जॉन्सन फर्नांडीस, अतिरिक्त कलेक्टर II आनी अतिरिक्त दंडाधिकारी (दक्षिण), श्री. स्वप्नील नायक, जिल्ल्याधिकारी आनी जिल्लो दंडाधिकारी दक्षिण तशेंच श्री. संजीव जोगळेकार, पर्यावरणी अभियंते गों.रा.प्र.नि. मंडळ आनी डॉ. मोहन गिरप, वैज्ञानीक 'सी', गों.रा.प्र.नि. मंडळ हांणी निशाणी केली.

26/04/2017 दिसा भौशीक सुनावणेक हाजीर आशिल्ल्या 762 जाणांनी हजेरी पटाचेर निशाणी केल्या. (वांगडा जोडल्या).

27/04/2017 दिसा भौशीक सुनावणेक हाजीर आशिल्ल्या 395 जाणांनी हजेरी पटाचेर निशाणी केल्या. (वांगडा जोडल्या).

29/04/2017 दिसा भौशीक सुनावणेक हाजीर आशिल्ल्या 114 जाणांनी हजेरी पटाचेर निशाणी केल्या. (वांगडा जोडल्या).

ही भौशीक सुनावणी 26/04/2017 दिसा स. 10:30 वरांचेर सुरू जाली आनी राती 11:45 वरांचेर वेळ कमी पडिल्ल्यान 27/04/2017 दिसा मेरेन स्थगीत केली. कांय विरोधकांक 27/04/2017 दिसा उलोवपाची परवानगी दिली पूण 27/04/2017 दिसा पूर्वनियोजीत दुसरी सुनावणी आशिल्ल्यान, प्रवेश चॅनलाच्या खोलायकरण संबंदांतली ही सुनावणी परतून स्थगीत करून 29/04/2017 दिसा घेतली. ही भौशीक सुनावणी 3 दीस मेरेन चल्ली आनी कोंकणी तशेंच इंग्लिशींतल्यान इतिवृत्त वाचतकीच सोंपली. लोकांच्या प्रस्नां संबंदांत स्पश्टीकरण दिवपाचो आदेश प्रकल्प प्रस्तावकाक अध्यक्षांनी दिलो. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्राधिकृत प्रतिनिधीन सकयल्ले प्रमाण सादरिकरण केलें.

1. इतिवृत्ताची पुराय रितीन नोंद घेतल्या.
2. प.प्र.त. अधिसुचोवणेंत दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण माहिती वा स्पश्टीकरण दिवंक एस.डब्ल्यू.पी.एल. बांधील आसा आनी तें ते लिखीत स्वरूपांत दितले.
3. सकयल्लीं 5 महत्वाचीं स्पश्टीकरणां लोकां मुखार दवरल्यांत.
    - भौशीक रस्त्यान/मार्गान कसलीच कोळसो योरादारी ते करचे नात आनी प्रस्तावीत वृद्धी प्रकल्पांत ती जावचीना.
    - अतिरिक्त निर्णायक कार्गोची हाताळणी करूंक सद्याची रेल्वे साधनसुविधा फावो तितली आसा, रेल्वे दुपेटीकरणाचो प्रस्ताव कंपनीन दवरूंक ना.
    - सद्याच्या उद्देगा खातीर एम.पी.टी.चें प्रक्रियाकृत सांडपाणी ते वापरतात. प्रस्तावीत वृद्धी खातीर उद्देगा लागीं बायणा हांगाचें 2300 कि.ली./दीस सी.ई.पी.टी. उदक वापरतले.
    - सद्याक वर्सूयभर ते ताडपत्रेन कार्गो धांपून दवरतात. एक ब्रावनफिल्ड प्रकल्प आशिल्ल्यान सं.सं. मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण ताचो विचार करतले.
    - आमच्या प्रकल्पाचो वांटो म्हूण आमी दर्यांत कसलेंच खोदकाम (ड्रेजिंग) करचे ना. ड्रेजिंग आसूं वा नासूं आमचो प्रकल्प स्वतंत्र आसा.

एकूण 36 निवेदनां प्राप्त जाल्यांत

आयज, 29 एप्रील, 2017 दिसा.

**(डॉ. मोहन आर. गिरप)**
वैज्ञानीक 'सी', गो.रा.प्र.नि.मं.

**(संजीव जोगळेकर)**
पर्या.अभियंते, (गों.रा.प्र.नि.मं)

**(जॉन्सन फर्नांडीस)**
अतिरिक्त कलेक्टर II आनी
अतिरिक्त दंडाधिकारी (दक्षिण गोंय)

**(स्वप्नील नायक)**
कलेक्टर आनी जिल्लो
दंडाधिकारी (दक्षिण-गोंय)